कुळागर

फेब्रेर–मार्च १९८९

कुळागर

फब्रेर-मार्च १९८९

वर्स : अिकरा

अंक : २–३

अंकाचें मोल : २ रुपया

वर्सुकी पटी : २५ रुपया

संपादक :

नारायण बादोळकार

जायरात विभाग प्रमुख :

अनिल पै

छापणावळ :

एस. जे. हुंद्रे

रवि मुद्रणालय, कडोलकर गल्ली,

बेळगांव. फोन : २३०७९

छापपी आनी उजवाडावपी :

चंद्रकांत केणी

कुळागर प्रकाशन,

पो. बॉ. नं. ७८

मडगांव–गोंय–४०३६०१

मांडावळ

O संपादकीय

निबंध :

O गोंयचे अर्थवेवस्थेतेचो समाज -जिणेचेर जाल्लो असर
O डॉ. ओलिव्हिन्यु गोमिश् O ३

कथा :

O रुचिकर हाप्पळ O ए. सदानंद पै O ६

O चंदनाचो रूख O सौ. मीना सु. काकोडकार O ९

O रुपयाचें मोल O सौ. दीपा मुरकुंडे O १२

O मोनो पारजत O चंद्रकांत केणी O १४

O प्लॉट O एन्. शिवदास O १६

अेकांकी :

O प्रस्न O शशांक सीताराम O १८

O सोपूत O रजनी भेंब्रे O २२

वाचप्यांचीं मत्तां :

O संवाद : सुसंवाद O विसंवाद O २६

ह्या अंकांत परगटायल्लीं मतां त्या त्या बरोवप्यांलीं. हातुंतले, बरपावळीचो उपेग करचो जाल्यार बरोवप्याची लेखी मान्यताय घेवप गरजेचें.

अिकराव्या वर्सांत...

फेब्रेर–मार्चाचो हो जोड अंक भातसो वेळान तुमच्या हातांत पडटा. एप्रिल म्हयन्यासावन कुळागर नेमान तुमचेकडेन पावोवपाचो आमचो यत्न आसतलो.

कुळागराचें हें अिकरावें वर्स. कोकणी साहित्याक ओंपिल्लें हें म्हयनाळें फाटलीं धा वर्सां सातत्यान अुजवाडाक येता. धा वर्सांतली कुळागराची वाटचाल सरळ-सोपी नासली. फाटल्या धा वर्सांत कुळागराक जायत्या अडचणींक मुखार वचचें पडलें !

कुळागर हें फायद्याखातीर चलयल्लें नेमाळें न्हय. अुरफाटें आयजवेर जायरातींचो व्हडलोसो आदार नाशिल्ल्यान कुळागर पदरचेच मोडीचेर चलता– लागून धा वर्सां चलत आसा. ह्या धा वर्सांत कुळागराक जाणी जाणी आदार दिलो– मागीर तो जायरातीच्या रुपान आसूं– पटयेच्या रुपान आसूं वा साहित्याच्या रुपान आसूं– तांचे आमी भोव अुपकारी आसांत.

कोंकणी समाज गोंयांत तसोच गोंयाभायर सगळ्या राज्यांनी पातळिल्लो आसा. तेच परी कुळागराचे वाचपीय गोंयांत तशेच गोंयांभायर सगळ्या राज्यांनी आसात. हे घटकेक सगळ्या राज्यांतल्या कोंकणी भाशिकांक कोंकणीच्या धाग्यान बांदून दवरचे प.सत सगळ्यांमदीं अेक सुसंवाद घडून येवप गरजेचें जावन आसा. हे नदरेन वेगवेगळ्या वाठारांतल्या कोंकणी भाशिकांचें, तांच्या वेगवेगळ्या शैलींतलें कोंकणी बरप आमी कुळागरांतल्यान दिवंक सोदतात. कोंकणीच्या शैलींच्या अभ्यासाचे नदरेन आनी तांतल्यान आमच्याच पैसावल्ल्या भावांक लागीं वचचे नदरेन ह्या बरपाकडेन पळोवचें.

हे फुडें कुळागरांतल्यान दर म्हयन्याक दुसऱ्या भासांतली अेकतरी बरी कथा अणकारून आमी दिवंक सोदतात. त्या भायर नव्यान उजवाडाक येतल्या कोंकणी पुस्तकांचें परीक्षण, तशेंच भुरग्यांपासत अेकदोन पानां दिवपाचोय विचार आसा.

हावेस खूब व्हड आसात. बरोवप्यांच्या आदाराबगर ते तडीक वचप शक्य ना. तो आदार आमकां आयजवेर मेळत आयला, तसो हे फुडेंय मेळत रावतलो अशी आस्त बाळगितांत.

देव बरें करूं.

– संपादक

गोंयचे अर्थवेवस्तेचो समाज–जिणेचेर जाल्लो असर

– डॉ. ओलिव्हीन्यु गोमिश

गोंयची अर्थवेवस्ता पुर्विल्या काळापसून सहकारी मांडावळीचेर चलून आयिल्ली. आपणाल्या लाबंददीक अितिहासकाळांत जरी गोंय साबार राज–चलोवप्यांच्या हातांतल्यान गेलें, तरी गांवच्या रासवळ जमनीचें धनीपण दरअेक गावांत गांवकारींच्या हातांत आसलें. सरकाराक फकत शिदाव वा जमनी– कर फारीक करचो पडटालो. जेन्ना गोंयच्या गांवकारांनीं पुर्तुगेज सरकारालागीं १५२६– आत करार केलो, तेन्ना तांतल्या णव्या अवेस्वरांत हो गांवकारींचो हक मानून घेतला. अशी तरतूद केल्ली आस्तानाय, सरकार गोंयच्या गांवकारींच्या कारभारात आपलें हात–बोट घालीत रावलो. १६४९– आंत काडिल्ल्या हुकुमाप्रमाणें गांवकारींचें धनीपण सरकाराच्या ताब्यांत आसतलें म्हणपाचें जाहीर जाले आनी त्या आदारार, आयिल्ले सरकार गांवकारींच्या कारभारांत लुडबुडूंक लागले. आखरेक गांवकारींक (Comunidade) सरकाराच्यो भाडेकरी अश्यो केल्यो.

गांवची सगळी जमीन, रोयिल्ली तशी पडांग, रासवळ रीतीन गांवकारींत आस्पावताली. 'भरड' म्हणून पाचारिल्ली जमीन वांगडयांक वा हेरांक शिदाव फारीक करून वांटून दिल्ली. जणअेक गांवकारींत मुदलच्या शेतकार–गांवकारांच्या कुटुंबाचे वो तांच्या वारस दायज्याचे 'वांगड' आसले. तातूत हेरांकूय घेताले जे जिनसांवार कारणांक लागून उपरांत गांवकारींत भीतर सरिल्ले गांवकार–जणकार, जो हक तांका बाब–जल्मांत थावन आसा पुण तेरा–चौदा वर्सा पिरायेर फळाक येता, आनी 'Occiousitas' वा वांटो विकतो घेतिल्ले वाटेकार गांवकारीचे येणावळींत भागेली आसले. पुण मतदान करपाक आनी कारभारांत तोंड घालपाक फकत गांवकारांक फावो जातालें.

हे मांडावळी प्रमाणें, गांवची सकयली, जमीन सपाट जमीन सतत रोंवचेखातीर बरी आसली ती शेतां खातीर दवरिल्ली. तिच्या लागसारूच देवूळ बांदिल्लें मात्शे उंचायेर आशिल्ली जमीन गांवच्या गांवकारीच्या वांगडांक वांटून दिल्ली. तांच्या वांगडयांक रावपाक घरां बांदचे पास्वत. हे बिराडांचे कुणगे उपरांत वाडे म्हणून संवटोत जाले. तांच्या लागींच फळां बागो केल्यो, माडांभाटां आनी सुपारी माडियो. शेतां आनी दोंगर जंय भाजी–पालो आनी हेर वारवे रोवून काडूं येतालें आनी मानसो आनी तळयां–तळियांनी मारून आयिल्लें नुस्तें, रासवळ कोटीखातीर राखून दवरिल्लें आनी तीन–तीन वर्सांच्या काळाक पावणेर घालून गांवकारांमदी वांटून दिताले.

गांवचो कारभार गांवच्या धा–जाणां सभेच्या हातांत आसलो तांची जबाबदारी म्हळ्यार भौशीक घरां–अिमारतींचो परामस करपाची, बांद राखपाची आनी शेतांची उदरगत करपाची, गांबातलो सगळो बांदावळीचो आनी दुरूस्त करपाचो वावर पळोवपाची आनी भलायकी आनी देव–देवस्पणाची देखरेख करपाची. गांवकारीच्या हातांत आयिल्ली येणावळ ह्या कामाखातीर खर्चिताले. गांवची सेवा करपी म्हालो, काम्मार, कुम्बार, म्हार, बोया, घाडी आप–आपलो वावर करताले आनी त्या खातीर, तांकां बिराडां बांदपाक गांवकारान जमीन–कुडको दिल्लो आनी 'नमस' आनी 'मिरास' म्हणून पाचारिल्ली सगळ्यांत वरी पिकावळीची शेता–जमीन दिल्ली.

गांवच्या खुस्तार गरजेप्रमाणें कारभारी आनी कारागीर दवरिल्ले. ते चड करून बारा जाण आसले. तांतलें मुखेल म्हळ्यार गांवचो 'वडील' जो जमीन कसपाचें, कर वसूल करपाचें, गांवच्या भितल्ल्या अर्थवेवस्तेकडेन संबंदीत आशिल्ल्यो सगळ्यो गजाली कारभारी आनी न्याय–नीतीचो वावर, पळेतालो, पुण सदांच भौसाच्या देखरेखीखाल. गांवचो वकील सरकारामुखार वेतले गांवकारीचे सगळे प्रस्न हाताळटालो. मागीर गांवकारीचो कुळकरणी आसलो जो गांवच्या कारभाराचो हिशोब–किताब दवरतालो त्या भायर कर/वसूल करपी अधिकारी आसलो जाका पोतेकार म्हणटाले, तो कायदो पाळून घेतालो आनी कर वसूल करतालो गांवचीं भाटां–बेसां तेळपाखातीर 'तल्ल' आसलो. देव–देवस्पण करपा खातीर देवळांत भट नाल्यार गुरव आसलो. ह्या आनी हेर देवळाच्या अधिकाऱ्यांभायर, वयर सांगिल्ले सेवक आसले, भांग

पेटपाक सोनारशेट दवरिल्लो आनी वखद–विर्सद करपाक वैज आसलो.

सरकाराक फारीक करपाचो शिदाव आनी हेर कर मागण्यो पायल्या उपरांत आनी गांवच्या कामांचो खर्च काडून आनी वावुरप्याचें पाग घातल्या उपरांत, उरिल्ल्या दुडवांतल्यान, वांगडां-प्रमाणें, फावो ती पिराय जाल्या दरअेक दादल्या मनश्याक, जणकाराक आनी कुळाचारीक 'जण' वांटून दिताले कुळाचारी म्हळ्यार जे मनीस नीज गांवकार नासून आदल्या काळार गांवांत–मनीस–बळाचो उणाव भरून काडचे खातीर आयिल्ले आनी थंयच वसती करून राविल्ले. गांवच्या आदाव–खर्चात तांकां वांटो फावो जातालो पुण जापलें मत मांडपाक तांकां हक नाशिल्लो आनी तांच्यांनी सावकारीचे जमनी पावणेंत वांटो घेंव नज आसलें त्या खेरीज भायर पडिल्ल्या गांवकारांच्या विधवांक आनी तांच्या आंकवार आशिल्ल्या धूवांक 'जण' मेळटालो.

ही संपूर्ण अर्थ–वेवस्तेची गांवकारी संस्था न्यायनीतीच्योय गरजो भागयताली. पुण पुर्तुगेज सरकाराच्या सतत प्रयत्नांक लागून तिचेकडल्यान अिल्ले अिल्ले हक काडून घेतले आनी ती फकत शेतकामत करपी संस्था जाली. पुण फिरंगी गेले म्हणून आमी वेंचून दिल्ल्या गोंयकार सरकाराक ही संस्था बळीश्ट करपाची गरज दिसली ना म्हणपाचे येवजून खेद दिसता. १९६४– आंत शेतकामत कूळ कायदो आयलो (Agricultural Tenaney Act1964) आनी ताचे उपरांत १९६५–आंत फर्मायल्ल्या नेमां प्रमाणीं, नव्या सरकारान कुळांवटेन आपलें धोरण थारायल्ल्यान, हे गांवकारी संस्थेचो बळो घेतलो. गांवकारीक फावतालो तो शिदाव वा जमनी कर जो अेकवेळा ५० टक्के आशिल्लो तो मामको देंवोवन, फकत अेक सवो वांटो जालो. उपरांत १९७६–आंत हाडिल्ल्या दुरुस्ती विधेयका प्रमाणें तो सवो वांटो लेगित कोण दिना. गांवकारीचे आदले सेवक वा बलुते आप–आपणांक दिल्लें काम करीना जाले पुण तांच्या वाटचांक खातीर दिल्ली जमीन मात घेवन बसले. कसता ते शेता–जमनीचीं कुळां धनी जाली. अे, अेल. डायस जमीन–सुधारणेचीं समीती सरकारान नेमली पुण तिणे केल्ली शिफारस मात लागू केली ना. तशीच केंद्रसरकाराच्या येवजण मंडळाची गांवकारी संस्थें विशीं केल्ली सुचोवणी कोणें दाळ्ळी ना. तीं संस्था आतां मरणाचे अवस्तेंत आसा.

गांवकारीचेर आदारिल्ली अर्थ–वेवस्ता चड करुन शेत-कामनाचेर भर दिताली ताचे भोंवतणच्यो गरजो भागोवपाक हेरां काम धंदयाक वाव मेळटालो. देखीक गांवकारांची आनी हेरांचीं कपडे– आंगांचीं धुवपाक मडवळ आसले, शींवपाक दरजी आसताले, गांवाक अरोव–गोठो आनी खाणा-जेवणाच्यो वस्तू आनी न्हेस्पा पांगुरपाचें पुरोंवचे खातीर पसरकार आसले, भांगर–रुपें आनी तांच्यो वस्तीदागिने करपाक सोनार शेट आसले, नांगर द तें आनी शेतकामताक लागतलीं हेर आयिद्दा करपाक आनी सारकीं करपाक काम्मार आनी थवय आंसले, माडांची सूर काडून सोरो करपाक रेंदेर आसले, दुदाची पुरवण करपाक गंवळी आसले, नुस्तें मारपाक पागी वा खारवी आसले. ह्या वावर–धंद्याचेंरआटापून आदल्या तेंपार लोकाच्या मूळ गरजो बरे भशेन भागताल्यो.

पुण जतो लोकांकडो वाडत गेलो तशें हांतून सगळ्याचें आटापना जालें, गोयांत आधुनीकोकरण लहवू लहवू भितर सरतालें. आमच्या बंदरांनी तारवां येवपाक लागिल्ली. तांतूंत काम करपाक मनीस जाय आशिल्ले. बऱ्या पागाची नोकरी मेळिल्ल्यान आमचो कांय लोक भायर वचून तारवटी जालो आनी गोंयां आपल्या घरच्यांक दुडु धाडूंक लागलो. तांच्या नाडच्यार आमचे अर्थ–वेवस्तेंत दुडवांची भर पडली. लोकांच्या हातांत मूळ गरजां परस चड दुडू घोळूंक लागलो. तो खर्च जावन वेपार फुल्लो.

शेतकामच्यान व्हडली–शी प्रगती केली ना. जेन्ना गोंयांत १९५५–आंत अर्थीक आडो (economic blocade) घालपांत आयलो, तेन्ना पुर्तुगेज सरकाराक ह्या क्षेत्रांत कितेंय तरी करचें म्हणून दिसलें आनी तेन्ना शेतकारांक कांय सोंपेपणा सवलती दिवपाची तजवीज जाली. उदक–शींपणेच्यो येवजण्यो खरेपणांत आयल्यो आनी ह्या कामांत यंत्रा उपकारावपाचो प्रयत्न जालो. त्याच सुमाराक खणीवेलो मीना फातर आनी माती काडिना फुडें, आमचे अर्थ–वेवस्तेंत बरोच जीव भल्लो. जायत्या लोकांक नोकऱ्यो फावो जाल्यो, मानाय–कामेऱ्या धरून यंत्राचेर काम करपी, ट्रक–चलोवपी, बारजीचेर काम–करपी, आनी संबंदीत वावर-धंदो करपो मेरेन कितल्याश्याच लोकाक पोट भरपाक संदी मेळ्ळयो. मिना–फातर–मातयेची निर्यात करपाच्या वावरांत जायत्या जाणांक नोकऱ्यो मेळ्ळ्यो, निर्यात कंपनींनी साध्या कर्मचाऱ्याची ती तांत्रीक आनी वेवस्तापकाची, मिनाची ग्रेड आनी लोखणा आनी मेंगनीजांचें तांतलें प्रमाण तपासपाक उभारिल्ल्या प्रयोगसाळेंत वावुरपी, मुरगांव धक्याचेर कितलेशेव तरेच्यो नोकऱ्यो तयार जाल्यो. त्यो भरून काडपाक आमच्या लोकाकडन जमूक नाशिल्ल्यान, शेजारच्या आनी दुसऱ्या राज्यांतल्यान आयिल्ल्या लोकांची ह्या धंद्यांन चिरंगट जाल्या. मिन काडटल्या जाग्यांचो अेकवटेन, तर मिन निर्यात जातल्या जाग्याचेर दुसरेवटेन. आमच्या समाजांत तीड निर्माण करूक लागल्यान, कित्याक लोक साबार व्यसनांक बळी पडल्यात. शेतां उबंत पडल्यांत.

हेच नुस्ते मारपाच्या धंद्यात घडूंक लागला. पागेलां, फुटावणी, जाळां, पनेळांचे दिस फाटी पडूंक लागल्यात आनी यंत्र–बसयल्या बोटींचे दिस आयल्यात, आनी ताचे बरोबर भायलो लोक ह्या धंद्यात घुपूंक लागला. तांतले तांतूंत, मुंगटां मारपाचे आशेक लागून उथळ पाणयांत यंत्रबोटी वावरूंक लागल्यात आनी त्या पांच वांव खोलायेच्या धडे–वेल्या चिखलांत जल्मतल्या नुस्त्या तांती–पिलाक भयांकर मार बसता. ताका लागून नुस्त्याची फावो तितली वाड जायना. पुण अितलो बोवाळ जाल्लो आसतनाय, हाचे आड कांयच खरेले उपाय घेतलेनात. हाका लागून, अेके वटेन परंपरीक खारव्यां आनी यंत्र–बोटीकारां मदीं तंट्टे उप्रासले आनी मार–कार जाले, दुसरे वटेन नुस्तें उण्या प्रमाणांत आनी म्हारग दरेन बाजारांत येवपाक लागलां आनी गोंयकारांच्या बोल्याचेर ताण पडला. हें पुरो न्हय

जाल्ले भशेन, व्हडली होटेलां आयिल्ले नुस्तें चड पैशे दिवन भोंवडे-कारां खातीर म्हणून उखलन व्हरतात आनी सामान्य लोकांच्या जीविताचेर हाचो भोवूच अमर पडटा, त्या भायर मारिल्लें नुस्तें थंडासेंन चड वेळ सांबाळपाक जाल्यात.

भोंवडेकाराक लागून गोंयचे समाज–जीणेचेर खूब प्रभाव पडला. ताणी हाडिल्लो आनी खर्चिल्लो दुडू व्हडल्या प्रमाणान गोंयचे अर्थ–वेवस्तेक आनी ल्हान धंदेकाराक फायद्याक पडलो तरी दुडू हाडला. ल्हान गांटीचो भोंवडेंकार आपली रांदपाची मुस्तायकी घेवन येता आनी आमच्या रस्त्यांचेर आनी बागींनीं मळांनी आनी दर्या–देगेर बसून आपल्यो सगळ्यो गरजो भागयता. गिरेस्त भोंवडेकार व्हडल्या होटेलांनी रावून आनी तांकां भरपूर दुड दिवन गोंय पळेंवन घेता आनी ताचें पोटा–पाणयांचे करपाक तीं होटेलां सगळें चड–शें गोंया–भायल्यांच्यान हाडटात. तरी आसताना, भोंवडेकारांक लागून, गोंयच्या उदका, बिजली. जेंवणा-खाणा जिनसांच्यो पुरवटया-चेर खब ताण पडटा. सगळ्याक घाण–वडडाण जाता, गरजेवस्तूंचो उणाव निर्माण जाता आनी आमकां आमचें पोट अन्नुंचें पडटा. बयल्यान गांव–घरा परतल्या उपरांत हे भोंवडेकार आमचे नांव वगडायतात.

भोंवडेकारां खातीर आंखिल्ल्यो फुडल्यो येवजण्यो तर हांगा काझीनोस आनी रातचे वावुरतले थापतल्यो, तेन्ना आमच्या समाजाच्या नीतीक जीविताचेर केदी आगळीक जांव येता, ताचेर विचार जावपाची ताकतिकेची आनी म्हत्वाची गरज आसा. आदींव होटेलांनी आनी ल्हान–सान खाणावळींनी, चड करून वेळेर पात-ळिल्ल्या खोपींनी अमली पदार्थ वा ड्रग्स विकतात आनी आमच्या तरनाटचांक तांच्या फांसांक सांपडायतात. देवून हे विशीं जतनायेन पावलां माल्लींनांत जाल्यार आमच्या समाजाक खूब मारक पडपाचें आसा. दुडू मेळटा म्हणून आमी ह्या धंध्याक गरजे–भायर फुलोवन मातोवन हाडूंक उपकारना. तो आमच्या तांकी प्रमाणें आनी गरजां माणे मर्यादीत दवरपाची गरज आसा. नाल्यार आमचें गोंय चड-आनी चड प्रमाणान वेश्यांची, ड्रग्स आनी सगळ्या तरेच्या चोरांची आनी खुन्यांची घोल जातलो, आनी आमचो समाज विस्कटून पडटलो. बेशीस्त येवपाक लागल्या ती आळाबंदाक हाडूंक जाय.

गोंयचें उद्योगीकरण जांवंक लागिल्ल्यानूय भायल्या लोकांची हांगा गर्दी जाल्या, कित्याक ताका जाय आशिल्ले प्रशिक्षीत, कुशल कामदार आमचे लागीं नात. अेकवटेन आमच्या नरनाटचां मदीं बेकारी वाडत आसा, तर दुसरे वटेन आशिल्ल्यो नोकऱ्यो भरून काडपाक आमचे लागीं फावो ते मनीस नात. ताका लागून उबगल्ले, उदास जाल्ले आमचे तरनाटे गोंयचे समाज–जीणेचेर भार घालतले, हें आमी विसरूंक फावोना. ह्या ल्हान–व्हड उद्योगांत आमच्या भुरग्यांक फावो ती सुवात मेळपाचे दिशेन पावलां उखलपाक जाय, कामदार–वेवस्तापकूच न्हय तर उदयोगकार म्हणून.

आमचे गांठीचो दुडू बेंकांनी घाल्लो आसा, ताचो हे खातीर उपयोग करूंक जाय, आयज, हांगाच्या उद्योगांत तो उपकारायना जाल्यान, गोंयां–भायल्या वावरांत घाल्लो दिसता, जरी गोंयांत घालपाक कितल्योशोच संदी आसात. त्या दुडवांचेर आमचे उ मुदलचे आमच्या लोका खातीर फुलोवन येवंक जाय. ल्हवू आमचे अर्थ–वेवस्तेचीं सुत्रां गोंयकारांच्या हातांतलीं सुटूंक लागल्य हें तर स्पश्ट दिसता. आमची वोगी रावपाची, सोंसून घेवप वृत्ती आजून जाय तितली बदल्ली ना. आमच्या गोंयांत आ अेक तिसरो वांटो लोक भायलो येवन घर करून रावला. वयर, अेका लाखा परस चड भोंवडेकार हांगा दर वर्सा ये सगळ्या गरजे वस्तूंचेर आनी येरादारीचेर लेगीत चड घालतात. आमचे रस्ते रुंदावले नात आनी आमच्यो बसी तितल्या प्रमाणांत वाडल्योनात. देखून आयज जातले अपघात अ लोकांची चिरंगट आमकां सोंसची पडटा. आनी भायल्यांचे ब आमच्या लोकांच्या मनांत अेके तरेचो तिरस्कार आनी द्वेस निम जाल्लो दिसता. सगळेच वाटेन तो लोक आमच्या समाज–जीणे दबाव घालून आमकां विस्कळीत करून आमची स्थीरताय वगड म्हणपाची आयज आमचे मदीं भिरांत रिगूंक लागल्या. आमच गोंयांत फाल्यां आमचो समाज परकी जायत म्हणपाची हो धमकेचो भंय दिसता. हाचेर कितें उपाय घेवचे तेच अजून समजन

अेकामेकाचेर पातयेवपाचें आनी जीवाळचाचे, मायेमो लागशिल्ले जे आमचे मदीं संबंद आसताले, ते फकत वयल्या–व थळावे, मान–हालावपाचे संबंद जावन बसल्यात. जण अेकलो अ आपल्याचें सादोवपाक फुडे सरिल्लो दिसता, तें करतना हे माड्डून उडोवचें पडल्यार लेगीन. दुडू जोडपाचें आमच्या लो सुमारा–भायर पिशें लागिल्लें दिसता. अशें आसून चार पैशे मे म्हणून लोक, गांवांनी सुद्दां आपली घरां भायल्यांक भाड दिवपाक लागल्यात, हाचो परिणाम म्हळचार, भायलो, नाका–ज वृत्तीचो लोक आमच्या अेकावेळच्या शांत गांवानी घुसूंक लाग आनी तरेतरेच्या व्यसनाक, खून, मारामारीक वाव मेळ्ळा. आ समाज–जीणेंत गोंदळ मातत येता. आमचीं मुल्यां वडीक माल ध्येयवादी आनी त्याग करपाची वृत्ती चडशी दिसना. गल्फांतल चडप्रमाणान दुडू आयिल्ल्यान हें चडूच दिसूंक लागला. जरी आ समाज–जीणेंत अेकेवटेन अर्थीक गिरेस्तकाय आयल्या तरी दु वटेन ती दिसना आनीक नीतीक नदरेन तर दुबळेपण येत राव ह्या संकटा मुखार आमी थीर रावले ना जाल्यार, आमकां हे अर्थ स्पर्धेंत आमच्या गोंयकारपणाचो जीव मारून घेवपाची भि आसा. तशें घडचें न्हय आनी अैन वेळार आमी जागे, जागूत रा आमीं फुडलीं पावलां जतनायेन मारून आमची अर्थ–वेवस्ता अ समाजाची मांडावळ आनी सवस्तकाय सांबाळची, ही अि बाळगितां.

–

...चिकर हाप्पळ

– ए. सदानन्द पं...

घुं... घुं... घुं ! अरुणोदयाचे दोन घंटे फूडे गंगक्कान ...ा पीट घाडांचे समयार जंचो हो शब्दु सजवसरांतूले जनांक ...रिचित आसले. तानि हे एक पीडे म्हणु लेकिलना. उडिदा ...कल्लोवनु, गूळो करनु, मोवू करूक कांडणान सारि समय तो ...फातरारि धाडायतालि. एक सान दीवेचे उजबाडांतु साक्षात् ...वि म्हणु देक्कू पडतालि. त्या समयार तिगेले मनांतुले विचार ...ा तशि गंभीर रुपाचि जावनु दक्केयतालें.

'...धा वर्ष फूडे मेगेलो बम्मूणु, आस्ति–पास्ति कांय सांडणातिले, ...न चेर्डुवांक (एक चेल्लो–गोपु आनि दोन चेल्लियो– चंद्रा ...ा राजि) मेझे हरदेरि घालनु गेल्लो. तो जीवंत आस्तना ...रि–जायणि–पायणि म्हणु थोडे जन घरांत एवनु वोचून आसले, ...ले, पिताले. जाल्या हे धा वर्स भितर एक नरमनीषु तरि ...तु, घुवनु चोयलोना. बामणा मगलेन तानिय खंय गेल्लि ? ...थ जावनु आसिति ही बायलमनिषेन कशि कि हे सान चेर्डुवांक ...–पोगून कडचे ? बंधु बांधव म्हणु सांगचे नावाक पुरशि तं. ...ो, हांव कोणाचेचि मुक्कार हात नीट कोरना, दुसरांगेले पाय ...ा, मेगेले हात–पाया बळान मुक्कार वोचून तेगांकय पोसितलि. ...खातीर तं मवका हापळा दंद काडका जाल्ले. जाल्यार देवु ...टपति माक्का परीक्षा करता मु ! ना तं जाल्यार मेगेलो एकू पुतु, गोपु इत्याक गांवु सोडनु गेल्लो ? एक उत्तर सांगलेना. एक बपे पेटेयलेना. तो आसा कि ना म्हणु एक सूचन तरि ना. हे दूसरे महायुद्धान गांवांक नाशु पावेयलो. अत्यावश्यक साधनांक सर्व दश–वटेन जाल्ले मोल. 'राशन' सदि बराबर मेळना. जाल्यार हापळाक मोल चडेयल्यार, हान्नि भोवरियो उब्बारताय मु ! बड्डून एंचे चेल्लें एकेक जावनु युद्धाक वत्ताय, निपून परगांव वत्ताय– कोयं–बत्तूराक खंय. हे अल्पळे थकून दूर, दूर–बडकार. थांगा,... होटेलांत काय– छी . . तांचें मगशि मेगेलो गोपुय चंकीलो. भास, रीति, जाति–पांति विगट आसले दुरगांवांतूले जनाले सोवे– पेट्ट घेवनु अशि कश्ट काडका वे ?'

त्या 'दुर्गेले' दोळेंतु उदाक भरले. दुःखपूर्ण जावनु आसले मनान तीणे औडण केलि– 'मेगेलो गोपु वापस एत्ता तरि जायत, वेंकटपतीक दोन तुप्पा दिबलियो लायतलि आनि गणपतेक एक नाळें.'

० ० ० ०

घाडावनु मोवु केल्लेले उपरांत, ते पीट लोळोवनु दीडा नळि सरि करनु ताजे सन–सन कुटके करनु पतळांचे काम तं अति समय घेंचो भागु. ह्या कामांतु तिगेलि दोगिय धुव्वो साहाय करतालि. एकेक वेळे राजि गोपणा पासून निगितालि– 'अम्मा, गोपानु इत्याक दुरगांत गेल्लो ? तो भारि चांगु. देवळांतूलो निवेदाचो अप्पेचो कुटको शुरुवेर माक्का दीवनु मागिर तं तो खातालो. तो वापस आयल्यार आनिकय माक्का अप्पे मेळतलें.'

गंगक्का– 'माक्का इत्ते कळतागो, धुव्वे ? हांवे ताक्का सोव-लेना, मारलोना, चिरलोना. जल्यार, चंद करनु पोसितालि. इत्ते सांगचे... मेगेले ग्रहाचार. तो बल्लाव कटांत पोडणु, घर–गांवु सोडणु गेल्लो. देवु, वेंकटपतीन तं ताका चांगि बुद्धि दिस्सोंका.'

सुमार ९/९-३० घंटेक, कलचे निशे, दोन भाजिले हाप्पळ, ना जाल्यार कुंडचे मस्कटान नाश्ता. उपरांत, राजि अंगणांतु मंदूरि विस्कळावनु ते हाप्पळ ताजेर सर–सर करनु उडकायत. चोयल्यार एक आर–एम–एस सारटर तपाल सार्ट करचे वरी दिस्तालि. चंद्रा आनि गंगक्का त्या समयार घराचे अन्य काम–झाडप, न्हाण, उम्बलप, जेवणाक तय्यारि आदि करूक आरंभु करतालीं.

(गंगक्काले अभिप्राय प्रकार, चेलियानि थोडे वच्चूक, बोरों-वचाक आनि लेक करूक मात्र शिकल्यार पूरो) तशि, तीणें राजिलि सिकवण चारिचे दर्जे पॅचाक रव्वेयलि.

० ० ० ०

आनि दोन मासु मुक्कार गेल्यार, देवळांतु उत्सवु पॅतोलो. राजीन एक दिसा गंगक्का लागि शिकायत केल्ले :–'अग्गा, पोरू आराटाक नवे वस्त्र शिवोवनु दीन म्हणु तूवे सत्य केल्लेले, ते खंय गेल्ले ? उपरांत, पडवो, चौवति, दसरा, दिवाळि आदि विशेष दिसांक माक्का पर्णे वस्त्र नेसुका जाल्ले. ताजे ऊंच, अय्यो, सखियान केल्लेलि निंदा. तो उडगासु माक्का आजिय लज्जायता. ह्या पावटि नवे वस्त्र शिवोवनु दिल्लेना, हांव देवळाकडे घूवनु सरि चोंना.'

गंगक्काक चुरूक जाल्ले. ' अगो, तशि संगूक नज. तुक्का नवे वस्त्र कोरोंचे खातिर हांवे एक्कडे केल्लेले वीस रुपये घेवनु गोपांनु गेल्लो गो, इत्ते करप ? मेगेले कपाल ! ह्या पावटि तुक्क कशीं करनु नवे वस्त्र शिवोवनु दीन. जाल्यार, देवळांतु बोच्चुन्ना म्हणु मात्र संगशी, वेंकटपति एकलो तं अंका राकचो, जाणवे ?'

० ० ० ०

सुक्कल्ले हाप्पळ काडणु ९९ हापळांचे एकेक काट करनु बंदुका – १०० न्हय ९९- इत्या ? एक हाप्पोळु करतल्याक रबचो तं म्हणु शास्त्र आसा. हे फारप न्हय. ' सोनार भांगार फारताय, व्यापारि तुकांतु ऊणाव करताय, भरशिताय. जल्यार न्याया लेक्कान मक्का राबचो वंटो काडचांतु चूकि कसलि ? ' म्हणु गंगक्का तर्क करतालि.

देनपारा ३–४ घंटे समयार, होटल. अंगडि, मेस्स घर आदि-कडे हाप्पोळु वंटक ती भायर सरतालि. दुड्डु दिचाक थोडे जाण तो-डोवु करताले जल्यार अन्य थोडे जाण तिगेले लेक चुकले म्हणु वादु करताले. तिगेले लेक मत्यां भितर तं आसले, बरवप ना. न्हँय जल्यार घराचे पाणरारि बोरे बरवनु लेकतालि.

गंगक्कालि भारि मोगाचि ' कस्टमर ' तँ तिगेले गोवंडिचे (बीटाचे) कडेरि राबचि राधाबाई. गावांतु सडा घुवनु सुस्त जावनु एंचि गंगक्काक बैसोवनु ती, कापि, खाण आदि तशि अस्तना दित्तालि. गंगक्काले प्रारब्धं क्षमेन आयकुचि राधाबाईक आपणाले एकेक प्रश्नाचे उत्तर दींवनातिले गंगक्कान सोडणा.

' राधाबाई, तूचि सांग– हावे धा मासांक तावका, मेगेलो गोपूक, पोटांतु व्हवलेक नावे ? चौदा वर्षांक पोसिलोनावे ? स्कूलांत सिक्केयतालि नवे ? फाय तो एक व्होडु मनीपु जावनु एंका म्हणु नवे मेगेलि आशा ? कामांतु ताणे माक्का सहाय करूका म्हणु आशा ना. पार्वतेक्कालो वासु तिक्का भारि सहाय करना वे ? ती ताक्का मारता लगेन. जल्यार हांवे तशि कांय करनि आस्तना, मेगेलो गोपु वेगळांनि सांगले आयकातालो, करतालो, माक्का लेकिना आसलो. त्या विशाक वे हॉव ताक्का पोसितालि?' ताणे जाँवु सोडणु वोच्चुका आसले वे ?' अशि आसले अनेक ' लीडिंग ' प्रश्नेक राधाबाईन उत्तर दींनाशि गंगक्कान सोडणा. राधाबाईन ' व्हय ' म्हणु सांगु भितर तो सवाल करनू आसतालि, उपरांते मुक्कार वत्तालि.

० ० ० ०

गंगक्कान हाप्पोळु वंटुच्चे रब्बोवनु आतं एक मासु जाल्लो. राजि तं तिझे बदलि वत्तालि. जनांक ताझे कारण अगूर जावनु मनांतु जाल्ले-गृण जांवनातिलो क्षय रोगु म्हणु. फूडेचे धा वर्षि भितर, थोडे प्रमाणात अन्न आदि खावनु, भारि परिश्रमु करनु मनांतु हिमालयाचो तेदो विचारूय घेवनु आसले निंति तिगेले आरोग्याक नाशु पावलो. क्षय रोगुय लागलो. ताका आक्कद ना. जाल्यार चंद्राले व्हर्डिके खातिर तीणे ५०० रुपये एक्कडे करनु दवळें आसा.

' ते रूपये काडणु ओक्कदाचेर खर्चु करचे वे ? हो रोगु दूर जातलो वे ? विश्रांति करूक समय खंय ? हॉव मरनु जात्तेर तँ विश्रांति.' तशि ती सांगतलि.

देवळांतु आठ दिसाचो उत्सवु पावलो. दिस दीस, पांच काट हाप्पळ सप्ले करूक आर्डर मेळ्ळे. हे काम अति पुण्यकर. तिगेले हातान केल्लेले हाप्पळ खावनु तृप्ति पावलेले ब्राह्मणांगेलो अनुग्रह पूरोमु तिगेलो रोगु दूर करूक ! त्या खातिर, ती हे कामांतु मुक्कार सरलि. चेर्डवाले हातांत दिचे काम न्हय हे.

० ० ० ०

उत्सवांतु भितर एक दिसा गोपु आयलो. तो पॉन्ट, सिल्का चोगो हाताक वाच आदि घर्सुन, सिगरेट ताणु आसलो. शुरूवेर गंगक्काक तिगेले दोळारि विश्वास ना जाल्लो. मागिर, ताका पोटोवनु घरळो– ' मेगेले मोगा पुता, गोपू तू पोर्नून आयलो वे ? आतं माक्का आश्वास जाल्लो. हे समयार तू पावलोलो मेगेले भाग्य तं. मेगेलि प्रार्थना देवान आयकीलि.' फाँरू गल्लेले भंडार वापस मेळ्ळेले घन्याले संतोषावरि आसलो गंगक्कालो संतोषु. तशि, गोपानु आप्पो दितोलो म्हणु राजीकय.

गोपान तागेले साहसाक वंकाणसून सांगले– टिकट नातिले उजेमंडीर कोयंबत्तूराक गेल्लेले पासून, थांगा १५ रुपयाचें शंबळार होटेलांत काम मेळ्ळेले पासून, थँगाचे विशेष इत्यादि. जल्यार तागेले प्रतीक्षेचे उपराटि गंगक्काले दोळेंतु उदाक आयले– ' मेगेलो गोपू, मोगा गोपू, तू इत्याक अशि दुरगावांतु कष्ट काडटा. मेगेले दीस बोटार मेजूक पुरशि तं आसय. आतं तू वापस आयलो निंति, हांगा राबून शिकवण मुक्कार व्होरनु खँचे सरकारी कामांतु भर्ति जा. ताणे निंति अंका सगटांकय बरे जातले. आनी, चंद्राक व्हर्डीक

With Best Compliments From :

ONLY THE BEST MAKE HISTORY

HERSONS

(THE FIRST NAME IN SPRINGS)

Herson is known for quality, Thear of reliability has been by making product which meets The Sringent Standard of Original Equipment Automobile Manufacturers.

When You Need Springs Ask For Hersons.

Hersons (India) Steel Industries

OFFICE :
Nandanvan Apartments,
Luis de Miranda Road,
Margao-Goa.

FACTORY :
Shed No. D2-26,
St. Jose de Arael,
Margao Industrial Estate,
Margao-Goa.

HERSONS Telex : 196-205
Phone : 22975 21246

करनु पेटोंचाक आस. त्या खातिर हांवे ५०० रुपये एकडे केल्लेल आस, एक चेल्लाकय चोवनु दवर्लोलो आस.' रुपया नांव आयकचाक गोपूले दोळेंतु एक झगमगपन जाल्ले.

दुसरे दिसा गंगक्का तिगेलि आवडण पूर्ति करचे खातिर चंद्रालेय गोपुलेय साहायान देवळांतु गेल्लि. गणपतेक नार्ळु भेतीलो, वेंकटपतीक दोन तुप्पा दिवलियो लायलि. भरलेले हरदेन तीणे देवाक कृतज्ञता सांगलि आनि पूतु तिझे लागि आसुका म्होणु प्रार्थन केल्लि. तिगेले वळकीचि बायलानि–ददूल्यानि तिक्का भारि उपदेश दिल्ले.

तंतु भितर गोपु थोडे परणे दोस्तांचे लागि उल्लोवनु पक्किने घरकडे गेल्लो, सल्प समय दगर कसलकी सोद्दून गबलो, एक सानि चीरि काडणु तागेले ब्रीफकेसय घेवनु भायर चंकीलो. हीं सग कर्णि राजि रावून पळेयतालि. घराचे भायर एंचानीक अप्रतीक्षित जावनु गंगक्कालि भयणि कमळय तिगेलो बम्मूणु राममल्लोय, एदुराक आयले. अन्यगावांतु थकून तानि गंगक्काक पोळोंचाक एतालि तं. गोपूक आतं चिक्के गडबडि जाल्लि. तांचे लागि थोडे पुसपुसेवनु तांका घरांत भितेर पेटोवनु, अम्माक अप्पोंचे निब्बान तो बेगीन मुक्कार चंकीलो. जल्यार, राजीन सत्य सर्वय तांचे लागि सांगचानीक, राममल्लो भायर घातलो, बस स्टापा कडे वच्चे गोपूले नाव उल्दून ताका फाटि घेतलि. अर्ध वाटेर ताक्का रब्बेयलो आनि बळान वापस घरकडे हळ्ळो.

त्या भितर, गंगक्काक राबूक नज जाल्ले, चंद्रानय विगट दोन बायलानीय करनु घरांत हाडणु मंदुरेर निद्दायलि. तिगेले दोळेंक दृष्टि ऊगे जाल्लि, श्वासु काडूक जायना म्हणु जाल्लो. उसरमेटि काडता, काडता, भरलेले दोळेन तीणे सांगले– ' अरे गोपू, माक्काय तुगेलि भयणियांकय सोडणु, दुमरांगेलें सोवे अप्पोवनु घेंवनक्का. देवान तुक्का क्षम दिंचिना. पाप. राजि तुझे हातांत थकून अप्पो घेंचाक आनिकय कितले दिवस बैसुका ? अंका सोडणु वोच्चुना म्हणुय, भयणियांक चोवनु–पोळोरनु काडतोलो म्हणुय माक्का उत्तर दी. हाँव ... हाँव ..व....त्ता.

गोपूक उत्तर एना जाल्ले, तागेले दोळयानि तागेलि वंचनेक भायर दाकेयलि. तागेले हातांन निपेयलेले रूप्या चीरि भायर काडणु गंगक्काले हातांत दवलि. हे पोळोंचाक, थांगा चकिल्लि सर्व कायरिय तिक्का मनांत जाल्लि. तान्ने सूचनार्थ तिगेले दोळे विसकळेले, तंतूली उजवाडु ना जाल्लो, ते निश्चल जाल्ले, निर्जीव जाल्ले.

त्या समयार, देवळांतु लायलेलि दोन तुप्पा दिवलियो पीक्कने सोंतु जाल्लि. हे पोळोवनु देवा भटमम्मान हे एक दुःशकुन म्हणु सांगले. संब्रादणेक बैसले जन सर्वांकय गंगक्कालो हाप्पोळु भारि रूचिकर जाल्लो, तान्नि तिक्का भारि वंकाणसीलि. तागेलि तृप्ति पोळोवनु तिगेले आत्माक संतृप्त जाल्लि.

–■–

मेसर्स अनंत नरसिंह नायक असोसिएटस्

मडगांव–गोंय.

■ तार : बाबू

■ फोन : ऑफिस : २२१७१, २१३३५
घर : २२३१२

✻ मुडीस च्या ✻ प्रेस्टीज प्रेशर कूकर ✻

✻ क्वालिटी बिस्कीट आनी बाऊन्स दूध पावडर ✻

ह्या उत्पादनाचे गोंयचे एकमेव वितरक

कथा

चंदनाचो रुख

– सौ. मीना सुरेश काकोडकार

गितुलाचें लग्न थारलां. गितूल–म्हजी भाची. भयणीलें चली. दोतोर. भोव हुशार ! दोतोरकी सांबाळून नाटकांतय कामां करता. कथाय बरयता. खरें म्हळ्यार गितुलाक दोतोरच घोव मेळ्ळ्यार बरें जावचेलें अशें म्हाका दिसता. पुण ताका मेळ्ळो बेपारी. पैशेकार; पुण दोतोर न्हय... म्हाका आपलो बेठोच हुसको ! गितुलाचे दोतोरकेचें हांगा चीज जावचें ना. अशें जायतेकडेन घडिल्लें हांवें पळयलां. ' लग्ना उपरान्त बायलेन संसारच वेवस्थीत करचो. हेर धंदे कित्याक,' अशें म्हणपी लोक आयच्या काळांत लेगीत आमचे मजगतीं आसात–मागीर ते कितलेय सुसंस्कृत आसूं. हें हांवें म्हळ्यार गितूल हांसता– म्हण्टा, ' तशें कांय जावचें ना गे मावशे. म्हजें स्वताचें हॉस्पीटललेगीत उबें जायत बडये... '

पुण म्हाका ह्या घडयेची भिरांत दिसता. चलयेच्या कर्तृत्वाक लग्ना उपरान्त वाव मेळ्ळो ना जाल्यार ? – जाल्यार जायते फावटीं आपल्या आंगचे गुण विसरून फकत संसारांतच घुसपून गेल्यो चलयो थोड्यो मेळ्ळ्यो नात. जयू सारक्यो ! तातूंतल्यानय तड मारतलें जाल्यार चली बरोच खंबोर आमची पडटा. गितूल तशें आसा काय ना हें अजून कळूंक पावूं ना. आजवेरची ताजी जीण कांटयांविरयत गेल्या. अर्थात गितुलाक घरच्यांकडल्यान प्रोत्साहन मेळचें ना अशें हांव म्हणीना. घडये कुळारच्या मनशांपरस ताजी चड तोखणाय ताज्या घरच्या लोकांकडल्यान जायत. घडये तें म्हणटा तशें ताजें स्वताचें हॉस्पीटल लेगीत उबें जालें दिश्टी पडत. पुण जोमेरेन ह्या 'घडये'चें रूपांतर वास्तवांत जायना, तोमेरेन म्हज्या मनांतलो दुबाव कसोच फाटीं सरूंक तयार ना.

जयू म्हजी इश्टीण. आमच्या शेजरा राव. आमी वांगडाच शिक. जयू अभ्यासांत हुशार, तशेंच हेर गजालींतय. दिश्ट लागपासारके कर्तृत्ववान चली. बॅडमिन्टन चॅम्पियन. आनी आवाज म्हुण कितलो गोड ! वेळांत वेळ काडून तें शास्त्रीय संगीत शिक. फांतोडेर तें रियाझ करूंक बस तेन्ना ताजे सूर अळंग वाव्यावांगड आमच्या घरामेरेन पाव. ते आयकतना सदांच म्हज्या मनांत येयी, इतले सगळे गुण देवान हाज्या अेकल्याच्या पोशांत कशे घाले ? आनी मेळिल्ल्या दानाचें सार्थक करचेली इतली तांक ह्या जयूंत खंयच्यान आयली ?

ताका पि एच डी करचेली आसली. संगिताच्यो मैफिली गाजोवचेल्यो आसल्यो तें फुडाराचीं चित्रां चितारूंक लागलें कीं म्हाका अेकेवटेन ताजी नमाय दिस आनी दुसरेवटेन अुपाट तोखणायेन मन भरून वच. पोमीच्या कुळागरांतलो चंदनाचो रूख जयूक पळयतना म्हाका याद जायी.

शाळेंत आसतना म्हज्या वांगडा पोमी शिकतालें. तांचें व्हडलें कुळागर आशिल्लें. अेक दीस पोमीन महज आपल्या कुळागरांतल्या चंदनाच्या रूखाविशी म्हाका सांगलें. ताज्या कुळागरांत आमी जायते फावटीं खेळूंक वतालीं पुण थंय चंदनाचो रूख आसा हें म्हाका खबरच नाशिल्लें.

' चंदनाचो रूख ? खरें सांगता ?

' देवाच्यान तर.'

' मागीर हांवें कसो पळयलो ना तर तो ?

' चल यो... आंता दाखयतां... '

इश्कोलांतल्यान आमी बद्द पोमोल्या कुळागरांत गेलीं. ' हो पळय ' पोमीन थंयच्या अेका रूखाक हात लावन म्हळें.

' होऽऽ ? हो चंदनाचो रूख ?' हो तर हांव खेळटना बाराय काळ पळयतालें. ' आको माको तेल माखो ' करून खांब्यांनी खेळटना हाजोय आमी जायते फावटीं 'खांबो' केल्लो. हेर झाडांवरीच हेंय अेक झाड अशें हांव इतलो तेंप धरून चलिल्लें. आतांय म्हुण तें हेर झाडांवरीच दिसतालें हळडुव्यासार पुडी रंगाचें, पांचव्या

वार पानांनीं भरिल्लें. म्हजें मन बावन गेलें. चंदनाचो रूख वेगळो आसचेलो न्हय ? हो तर सामको सादारण ! हांवें झाडाक नाक लावन वास घेतलो. मातलेगीत परमळ आयलो ना.

'ओ पिशा, अशें न्हय... हांव दाखयतां.' अशें म्हणून पोमीन झाडाची साल काडली आनी तोंकाची बडी घेवन साल काडिल्ल्या जाग्यार कोंचायलें.

'आतां वास घे.'

हांवें पोमीन कोंचायिल्या जाग्यार नाक तेकयलें आनी दोळे धांपून घेतले. चंदनाच्या गंधान म्हजीं शिरंत्रां भरून गेलीं. 'हंऽऽ हा' धांपिल्या दोळ्यांसामकार चंदनाच्यो तरेकवार मुर्ती नाचूंअ लागल्यो. राधाकृश्ण... गणपती... सरस्वती...

लक्ष्मीची अेक चंदनी मूर्त म्हणे आजेचे आलमारींन आसताली. आजेन ती सेदाच्या कुडक्यांत गच्च गुठलावन दवरिल्ली. अेक दीस हांवें ती भायर काडून तिजो वास घेतिल्लो आनी आजेक म्हणिल्लें, आज्जे गे, ही सालांत बेस बरी सोबतली. सगळ्या सालभर परमळ सुट्टलो. हिका अशी गुठलावन आलमारींत कित्याक दवल्ल्या ?' आजेन सांगिल्लें, 'चंदन उकत्यार उडयल्यार ताजो गंध उडून वता. तो तसो वचचो न्हय म्हुण सेदांत गच्च गुठलावन दवरचें पडटा...

हांवें दोळे उकते केले. नवे नदरेन तो रुख पळयलो. कितलो सोबीत, कितलो सुदर ! रुख तोच आसलो. पुण म्हजी नदर वेगळी आसली. ल्हवपीक हातांनीं हांवें तो सांसपिलो.

पोमी तो परत कोंचावंक लागलें.

'नाका... पोमी, नाका गो...'

'नाका कित्याक ? तेबगर घमघम सुट्टा ?'

खरें म्हळ्यार आतां तो घमघम म्हजे नदरेंत रिगिल्लो. फकत त्या रुखाचेर नदर पडल्यार पुरो, सगळो वाठार घमघमूंक लागतलो आसलो. रुख तोच, पुण नदर वेगळी !

पोमीच्या कुळागरांतलो तो गंधाचो रुख म्हज्या काळजांत तस्सो उल्लो. दिसूंक हेर रुखांवरी, तरीकूय कितलो वेगळो ! मन भुलोवन उडोवपी गंध हाज्या गर्भांत बंदीस्त आसा, हें कोणाक कळचें लेगीत ना. ताजे वेगळे पण पारखुपाची तांक नामत जाल्यार तोय हेर रुखांवरीच अेक...

जमू तशें! पळोंवंक गेल्यार चार– चौगांभशेन; पुण तरीकूय तांचे परस वेगळें. आमच्यांतलेंच अेक जावन लेगीत आमच्यापरस वेगळें. त्यां चंदनाच्या रुखावरी.... !

आमी वांगडा ग्रॅज्युअेट जालीं. जयू युनिव्हर्सिटींत पयलें आयलें. M. Sc. करूंक मुंबय गेलें. म्हाका बँकेंत नोकरी मेळ्ळी. वाटो वेगळ्यो जाल्यो तरीकूय सुटयेंत जयू घरा येतकीर आशिल्ल्यो नाशिल्ल्यो गजाली आमचेमदीं जाताल्यो. उपरान्त म्हजें लग्न जालें. हांव पैस पावलें आनी आमचें मेळपय पैसावलें. फकत केन्नाय कुळारा गेल्लेकडेन ताजी खबर कळ तितली. जयू एम. एस. सी. जालें, ताका भांगरा पदक मेळ्ळें. आतां तें पी एच. डी. करचेलो विचार करता, हें ताज्या भावाकडल्यान कळ्ळें. आनी अेक दीस अकस्मात जयूच म्हाका मेळूंक आयलें. दोळ्यांत उपाट खोशी भरून ! लग्नाची होंवळीक दिवंक.

घोव मुंबयचो इंजिनीयर... स्वतःची कंपनी, घरदार गाडी... मोठें प्रस्थ !

'परबीं' हांवें खोशेन ताजो हात दामीत म्हळें, 'तुजी पी. एच. डी. गो ?'

'लग्ना उपरान्त करतलें.' ताणें हांसत सांगलें 'आमच्या घरांत सगळीं शिकल्यांत. म्हजो माय लेगीत ग्रॅज्युअेट. कोण नाका म्हणपाचीं नात...'

'तुजें गायन कशें चल्लां?'

'सगळें वेवस्थीत चालू आसा. रेडिओचेर आयकना तूं म्हजे प्रोग्राम ?'

म्हज्या जिवाक चोर कशें जालें. नोकरी, संवसार आनी लेखन ह्या बोवाळांत म्हाका केन्ना केन्ना उसरपतच मेळ नासली.

'लग्नाक येवंकूच जाय' असो आग्रो करून जयू गेलें. लग्न गोंयांतच आसलें. उपरान्त चार दिसांनी न्हवरेकारांचें मुंबयंत जंगी रिसेप्शन आशिल्लें. आमी लग्नाक गेलीं. लग्न भोव थाटांत जालें. न्हवऱ्या व्हंकलेचो जोडो अेकामेकाक सोबसारको आसलो. नव्या जोडप्याक परबीं दिवंक गेलें तेन्ना मुंबय आपल्यागेर मुजरत येवपाचो आग्रो दोगांनीय केलो. पांचवोचार शालू न्हेशिल्लें, दोळ्यांत खोशी भरून हांसपी जयू म्हाका बद्द आजेचें आलमारींतल्या चंदनाचे मुर्तीवरी दिसलें.

उपरान्त आमी खऱ्यानीच पैसावलीं. वर्सां वचत रावलीं. केन्नातरी मदींच जयूची याद येयी. रिमर्च करून तांतूंन नामना मेळोवचेली तांक जयूंत आशिल्ली. ताजो कितें ना कितें तरी उद्योग चालू आसतलोच हे विशीं म्हाका दुबाव नाशिल्लो; पुण मेळप जमून येनासलें.

० • ०

अकस्मात अेक दीस मुंबय वचचेलो योग आयलो आनी जयूक मेळचेली उमळशीक मनांत दाटून आयली. डायरेंतलो ताजो पत्तो हांवें मुजरत सोदून काडलो आनी मुंबय वतकीर पयलीं कितें केलें जाल्यार जयूचें घर सोदून तागेर गेलें.

जयूचो बंगलो जुहूक आशिल्लो. मुखार सोबीत गार्डन... लॉन... दार तांच्या गडचान उकतें केलें. भायतार आशिल्लो तरीकय जयू घरा आसत मू असो दुबाव अैन त्या वेळार म्हजे तकलेंत येवन घेलो पुण तें आशिल्लें जावंये. कारण 'बसा' म्हुण सांगून तांचो गडी भितर गेलो.

हांवें सालांतल्यान नदर भोंवडायली. बद्द सिनेमांतल्यावरी ताजें घर दिसतालें. मदीं येदें व्हडलें झुंबर लांबयिल्लें. पितळेचे व्हाज, मुर्त्यो, पॉलीश केल्लें चकचकीत फर्नीचर आनी थंयची

गिरेस्तकाय जाणोवन दिवपी थंड–शितळ, वातावरण.... जयू सालांत आयलें. खीणभर हांव ताका वळखलेंच ना. 'पेडावण' म्हणपा इतलें आंगान सुटिल्लें. हाजें खेळप सुटलां हें ताका पळयतनाच म्हज्या लक्षांत आयलें. म्हाका पळोवन जायू इतलें खुशाल जालें कीं वेंग माल्ली ती सोडीच ना.

'बरें जालें गो जूस्त तूं आयज ह्या वेळार आयलें तें. घरांत आनीक कोणच नात. मेकळेपणान उलोवंक मेळ्ळें.'

'खंय गेल्यांत तर सगळीं? आयज तर आयतार मगो?'

'हे कंपनीच्या कामाक जपानाक गेल्यात. मम्मी तिजे किटी पार्टेक गेल्या. डॅडी माथेरानाक गेल्यात संगिताक आनी हरिशाक घेवन. थंय आमचो बंगलो आसा म्हणटकीर सुटी आसल्यार जाय तेन्ना माथेरानाक वचून येतात आमी.'

'तूं बरें उल्लें घरा!'

जयू हांसलें; 'तूं येतलें म्हुण सपन पडिल्लें म्हाका देखून तर रावलें.'

'तूं सध्या कितें करता?'... हांवें विचाल्लें.

'...पि एच डी जालीच आसतली तुजी? डॉक्टर जयू म्हणूपाचें मगो तुका!'

जयू हांसलें, 'खंयची डॉक्टरेट? आतां संसार अेके संसार.'

'म्हणचे?'

'म्हणचे हांवें पिएचडी केली ना'

'कित्याक गो?'

'लग्नाउपरान्त रोकडेंच संगीता जालें... फाटोफाट हरीश जालो.'

'आगो, पुण घरांत भुरग्यांक पळोवपी इतलीं मनशां आसतना तुका...'

'तरीकूय म्हाका पिएचडी करूंक वेळ मेळ्ळो ना. सगळ्यांचें मत्त जालें, डॉक्टरेट मेळोवन तरी कितें फरक पडचेलो आसा!'

'कितें उलयता गो तूं?'

'खरें तेंच सांगतां.'

'ताणीं तशें म्हळें आनी तुवें मोन्यानी मानून घेतलें? येदे व्हडलें गोल्ड मेडलीस्ट तूं!...'

'हय गो, पुण डॉक्टरेट मेळोवन तरी फुडें हांव कितें करतलें आसलें? नोकरी मगो? पुण तें आमच्या घरांत कोणाक पसंत नासलें. तुवें नोकरी करचेली कसली गरज, अशें तांचें म्हणणें तेंय खरें... तूं पळयताच...' जयून आपल्या घरच्या वैभवावटेन हात भोंवडायत म्हळें, '... म्हाकानो करेची गरज ना...'

हांव जयूक पळयत उल्लें... फकत पयशांची गरज भागोवचे–खातीर जयू डॉक्टरेट मेळोवंक सोदतालें? सहज सगळे सोडून दिवपा इतली ही सोपी गजाल?...

'चल तुका आमचो बंगलो दाखयतां' जयून विशय बदलून म्हळें.

सगळें घर भोंवडावन दाखयलें. अेके कुडींत गवसणींतलो तंबोरो दिसलो.

'तूं हांगा रियाझ करता?' हांवें विचाल्लें.

'रियाझ आनी खंयचो? वेळच मेळना गो. हांच्यावांगडा म्हयने कणकणीं हांव घराच नासतां. हांगा थंय टूर. घरा आसता तेन्ना आत्यापैन्यान लोकांगेर पार्टयो अॅटेंण्ड करच्यो पडटात आनी आमगेरय दिवच्यो पडटात. रातीच्यो राती जागरणां. इतलें पुरो जाता कीं परत फांतोडेर उठून तंबोरो हातांत घेवचेलें त्राण लेगीत उरना.'

'म्हणटकीर?'

'म्हणटकीर आनी कितें? आतां संगीत फकत म्हज्या संगितात!...' आपले चलयेचो उल्लेख करून ताणें म्हळें.

इतलें कशें बदललें हें जयू? खऱ्यानीच बदललां. काय म्हाका दाखोवपाक नाटकां करता? खऱ्यानींच आपल्या संसारांत हें इतलें तृप्त आसा कीं जें कितें ताणें शेणयलां तेविशीं ताका मातय खंत ना? म्हजी नदर ह्या जयूंत म्हजें आदलें जग सोदीत रावली. जिणेंत कितेंय तरी करून दाखोवचेलीं सपनां पळोवपो! ताजे कितलें वेगळे चित्र आशिल्लें म्हज्या मनांत; पुण आयज ताणें स्वताच तें आपल्या हातान पुसून उडयिल्लें...!

'जयू, खरें म्हळ्यार तुजेविशीं आमकां सगल्यांक खूब अपेक्षा आसल्यो. आमकांच न्हय तर खुद्द तुकाय त्यो आसल्यो...'

'तेन्ना आशिल्ल्यो गो... मनीस सदांच अेकेतरेन उरता? मनशाचें व्यक्तिमत्त्व भोंवतणच्या Circumstances खूबशें अवलंबून आसता...'

'मनशाचे इच्छाशक्तीचोय तातूंत व्हड वांटो आसता, हेंय नदरेआड करूंक जायना...'

'हं.'

'जयू, निदान तुजें संगीत तरी तुका जाय जाल्यार तूं सांबाळूंक शकतालें. पुण तुज्यो priorities तुवें घुसपायल्यो. तुजी कला आनी संसार दोनय बेस बरे तरेन सांबाळचेली तांक तुज्यांत आसून लेगीत तुवें...'

'निलू, खरें सांगतां, म्हजीं तेन्नाचीं सपना पुराय जालीं नात ही अेकच खंत सोडली जाल्यार म्हज्या संसारांत हांव पुरायेन सुखी आमां' कितलें सहज सांगलें हाणें! आयज बायलांचें क्षेत्र आपल्या संवसारापुरतेंच मर्यादीत उरूंक ना. तांचो आंवाठ आतां सगलो संवसार जाला. देखूनच तर दोनय कडचें संतुलन बेस बरेतरेन सांबाळचेली तांक जांच्या आंगात आसता, ताणीं तरी आपल्या कर्त्वृत्वाक शीम मेर घालून घेवंक जायना, हें जयू नकळो अशें न्हय...

हांव मागीर त्या विशयाचेर चड कांय उलयलें ना. मोन्यानी जयूच्यो गजाली आयकत रावलें, पुण म्हजीं चिंतना दुसरेकडेन शेणिल्लीं.

(पान १३ पळयात)

रुपयाचें मोल

– सौ. दीपा मुरकुंडे

सा डेचारांचे ट्रेनीन सदच्यावरी भाजेच्यो गोण्यो आयल्यो. लक्ष्मीबायच्या घोवान आज मात्शी चडूच भाजी हाडिल्ली. मेथये–कोथमिरीच्यो इतल्यो चुडयो खपत काय ना, हाजो लक्ष्मीबायक मात्सो हुसकोय आशिल्लो. पुण ना. आतां आठ वरांमेरेन सदच्य परस चड भाजी विकून दोगांय जाणां, कामाचें चीज जालें– चार पैशे मेळ्ळे– म्हणून समादानान आशिल्लीं. आवराआवर करून घेवपाक म्हणून लक्ष्मीबायन मेथयेच्यो उरिल्ल्यो चुडयो काडपाक सुरवात केली आनी... आनी अचकीत एक रुपयाची नोट चुडयो काडतना तिका मेळ्ळी. तिणें ती नोट फाटल्याफुडल्यान पळयली. हय, ताका ल्हानसो शाईचो दाग आशिल्लो. खीणभर तिज्या काळजांत कलकललें आनी सगळ्या दिसाचें समादान शेणिल्लेभशेन जालें...

० ० ०

तें आयचें पयलेंच गिरायक; पुण गणेस पुजेक कुसको नाल्ल जाल्लेभशेन तें गिरायक जाल्लें. तशी ती बायल घरंदाज दिसताली; पुण हालीं तेंपार दिसता तशें कितेंच नासता. ते बायलेन लक्ष्मीबायक विचाल्लें,

'मेथये चुडयो कश्यो?'

'रुपयाक दोन.' लक्ष्मीबायन सांगलें.

'तीन दी. दिता मगे?' तिणे विचाल्लें.

'घे' लक्ष्मीबायन जाप दिली. तश्यो तिणे बऱ्योश्यो तीन चुडयो वेंचून काडल्यो. लक्ष्मीबायक दाखोवन आपले बॅगेंत घाल्यो. खरें म्हळचार लक्ष्मीबाय तेन्ना आपलेच तंद्रेंत आशिल्ली. ही इतली भाजी आज खपतली काय आंगार पडटली? इतल्यांत तो बायल भाजी घेवन वचपाक लागली.

आरेच्च्या! ही बायल पैशे दिना आसतना वता! लक्ष्मीबायची तंद्री भंगली. 'ए बाय, भाजेचे पैशे दी.' लक्ष्मीबायन तिका आपयली.

'पैशे आतांच दिले मगे तुका. कागदाचो रूपया तुगेल्या हातासरीं उडयल्लो. मेळोना?' तिणे जाप दिली.

'हांगा खंय आसा? पळे बाय, हांगा आतां एकूय गिरायक ना आनी म्हजे डबयेंतूय कागदाचो एकूय रूपया ना.' लक्ष्मीबायन आपली पैशांची डबी उगडी करून दाखयली.

'पुण हांवें तुका खरेंच रूपया दिला, ताका एके वटेन ल्हानसो शाईचो दाग आसा. म्हजेचकडल्यान चुकून लागला. आनी एका रूपयाक लागून हांव कित्याक फटींगपणा करूं?' ते बायलेन म्हळें.

'मागीर हांव फटयतां? आयजमेरेन हांगा अशें केन्नाच घडलें ना. भाजी मार्केटांतलो सगळो लोक म्हाका वळखता. हांव फटींग न्हय.' लक्ष्मीबायन आवाज चडयलो. तिगेलो खणखणीत आवाज आयकून भाजीवाले भुर्र करून तिज्यासरीं एकठांय जाले.

ती बायलूय धीट आशिल्ली. एकूण सगळें वातावरण पळोवन तिणे म्हळें, 'हांवें तुका रूपया दिला. पुण तूं नाच म्हण्टा जाल्यार हो आनी एक दितां.' अशें म्हणून तिणे पर्स उगडून लक्ष्मीबायक आनीक एक रूपया दिलो.

पुण अमलें उणेपण लक्ष्मीबायन कित्याक घेवचें? तिणे आवाज आनीकूय वयर चडोवन म्हळें, 'रूपया दिला आसतना आनीक एक दिता म्हणपाक ही लक्ष्मीबाय हांगा लोकांक नागोवंक बसूंना. ह्या मार्केटांतले सगळे लोक म्हाका वळखतात. हांवें केन्ना कोणाचो एक पैसो खालो ना. नोट दिल्ली जाल्यार ती खंय गेली तर?'

थंयचे लोक लक्ष्मीबायक वळखताले. खऱ्यांनीच ती फटींगपणा करपी बायल नाशिल्ली.

'गरिबांक नागोवन हे लोक पैसो करतात.' ते गर्दीतल्या एका मनश्यान ते बायलेक थोमणो माल्लो.

'हांवें तुका रुपया दिल्लो. पुण तुवें ना म्हणटकूच हांवें तुका परतोय आनीक एक रुपया दिलो. मागीर आनी आवाज काडून ही गर्दी कित्याक करपाक जाय?' ते बायलेन थंडसाणेन पुण खणखणीत आवाजान विचाल्लें.'

'आवाज काडून गर्दी केली म्हणून हिजो रुपया दिलो.' आनीक एक आवाज आयलो आनी फाटोफाट कितल्याश्या लोकांचो हांसोय.

इतल्यात दोग भाजीवाल्यांनी म्हळें : 'ना, ही बायल मदांच आमचेकडल्यान भाजी व्हरता. हिणें केन्नाच फटींगपणा करूंक नात.'

'मागीर एका रुपयाक लागून हांव फटींगपणा करतां ? तुमी म्हाका कितली वर्सां वळखतात ?' लक्ष्मीबायन विचारलें.

'तेंय खरें' त्या भाजीवाल्यांनी जाप दिली

'आतां हांव वतां. हांवें रुपया दिल्लो. तुवें ना म्हणटकून हांवें आनीक एक रुपया दिलो. तरी पुण बोवाळ कित्याक ? म्हाका वचूंक दी.' ते बायलेन म्हळें. ती गर्दीतल्यान भायर सरतना लोकांनी तिका थोमणें कुटले मालेच. तरी पुण ती त्या लोकांक जाप दिनामतना ओग्गी रावन गेली.

० ० ०

आनी तो कागदाचो रुपया आतां मेळिल्लो. हय, तो तिणेंच दिल्लो रुपया-शाईच्या ल्हानश्या दागाचो. तिणें तो रुपया सकयल उडोवपाक मेथयें चुडी ताजेर पडल्या जावंये. पुण लक्ष्मीबायक तो दिमलो ना.

तो रुपया हळूच काडून तिणें घोवा सामकार घल्लो. लक्ष्मीबायचें देंविल्लें तोंड आनी गुन्यावकारी नदर तिज्या दुखऱ्या काळजाची व्यथा उक्तायतालें. शाईच्या दागाचो रुपया पळोवन घोवान लक्ष्मीबायचें मन जाणून म्हळें,

'ती बायल ह्या मार्केटांत भाजी घेवपाक जेन्ना येतली तेन्ना हो रुपया आमी तिका दिवंया.'

'आनी चारचौगात काडिल्ली तिजी लज ?' लक्ष्मीबायन दुगऱ्या आवाजान विचारिल्ल्या ह्या प्रश्नाक तिज्या घोवाकडेन लेगीत जाप नाशिल्ली.

—※—

चंदनाचो रुख

(पान ११ वेल्ल्यान)

म्हाका दिसताली चंदनाची अेक गंध उडून गेल्ली मूर्त... चंदनाच्या रूखावरी आतां ती मुर्तय बो चंदनाची हें कळलेगीत नासलें. पुण रूख आपल्या गर्भांत तो गंध सांबाळून दवरता, तर हे मुर्तीक आपलो गंध केन्ना उडून गेलो हेंच कळूंक नासलें ! काळजांत अेक खंत घेवन हांव घरा परतलें.

० ० ०

ह्या खातीर म्हाका गितुलाचो हुसको दिसता. घडये हाजींय सपनां हाका कळनासतना शेणून वचची नात मू ? उपरान्त लग्नाच्या बोवाळांत आमी घुसपून गेलीं.

अंतरपाटा भाड माळ घेवन उबें आशिल्ल्या गितुलाक पळयतना दोळे भरून आयले. ताजीं ल्हानपणासावन आतांमेरेनचीं सगळीं रूपां दोळ्यांसामकार येवन गेलीं आनी पळयतां, पळयतां गितूल आज्जेचे आलमारींतली चंदनी मूर्त जावन गेलें. मायेच्या वस्त्रांत गुठलावन वाडयिल्लें... सुगंधी !

हाज्या गुणांचें चीज व्हेल्ल्या घरा जायत मूं ? मुळांत ताज्या गुणांची पारख तांकां जातली मूं ? जाली ना जाल्यार बावून बचनासतना आलें खाशेलपण सांबाळचेली तांक ह्या गितुलांत आसत मूं ? हे आनी असलें जायते दुबाव म्हज्या गळ्यांत आंवडो जावन घुसपले ..

'... शुभमंगल सावधान...' अंतरपाट कुशीक सल्लो' व्हवन्या व्हंकलेन अेकमेकांच्या गळ्यांत माळ घाली. लोकांनी तांचेर अक्षता घाल्यो. सगल्याक उमेदीचें, खोशेचें वातावरण पातळ्लें म्हजी नदर गितुलाचेर गेली. ताज्या ओल्या दोळ्यांत उमेद, खोशी, फुडाराचीं म्होंवाळ सपनां उपाट भरिल्लीं. तीं पळयतां, पळयता म्हज्या गळ्यांत घुसपल्लो दुबावाचो आंवडो हांवें ल्हवूच गिळून उयदलो... खाऱ्या उदकावांगडा... ...

—※—

दुकळे, भोबे आनी कंपनी

पणजी

※ प्लायवूड ※ सनग्लोस

※ सेनिटरी वेअर आनी ※ ग्लेझ्ड तिजुले

When you plan bathrooms
to last a lifetime, beautifully.



मडगांव-शो-रूम

सॅनी-प्लाय सेंटर मडगांव

मोनो पारजत

चंद्रकांत केणी

जिणेची सांजवेळ ताका खावंक येता.

सांजवेळच्या वेळार सूर्य अस्तंतेक देंवता आनी रूखांच्यो सांवळ्यो लांबत बतात. त्या सांवळ्यांकडेन तो पळयत रावता. पळयतां पळयतां एक एक सांवळी ताज्या मनांत भीतर मरता आनी पुराय मन गुप्ताट काळखान भरून येता.

भायलो काळोख दाटत बता तसो भायर लॉनाचेर बशिल्लें कडेन तो काळखांत विरून बता. सगळे कडेन काळोख. मनांत आनी वातावरणांत. मागीर अचकीत मळबांत एक एक नखेत्र उदेता. खिणाभरयांत

नखेत्रांची पुराय घुमटी तेजोस्ट चकचकान भरता. पुण तागेल्या मनांतलो काळोख दाट दाट जायत उरता. एक सुस्कार सोडून तो उठून घरांत येता. दिवो पेटयतकच भायर उजवाड फांकता. पुण मनांत त्या उजवाडाचें एकूय कीर्ण पावना. एके तरेचे उदासपण तागेली बुद्द भेरायता. आनी आंगातलें बळ गळून पडिल्ले वरी ताका दिसता. ते गलीतगात्र अवस्थेंत तो भीतर येवन खाटीचेर पांय सोडटा आनी दोळे धांपून घेवन सपनांच्या संवसारांत रंगून बता.

ताज्या दोळ्यांमुखार ती येता. तिचीं नाना रूपां...

पन्नास वर्सां जाली ते गजालीक. पुण ताज्या काळजावयलो घाय आजून ओलो आसा. निवृत्त जावचे आदीं तो सदांच कामांच्या व्यापांत घुस्पून उरतालो. तेन्ना देहाक आनी मनाक थाकाय आसली. तोमेरेन ती याद सुखदिणी दिसताली. आज ती भगभगता. तारवटी मिरसांग चाबतकच तोंडाक पडटात तमले हुलप आज ताज्या काळजाक पडटात आनी त्या हुलपाचेर शीतळ फूंक घालपाच्या यत्नांत तो तिजो उगडास काडटा.

जिणेंत तो तिजेकडेन एकय उत्तर उलोवंक ना. तिजे नदरेक ताणें केन्ना नदर दिवंक ना. घडचे एक वेळ नकळटना तांच्यो नदरो एक जाल्यो आसूंये ताजे जिणेंत ती थोडयाच दिसांखातीर आयली आनी अचकीत उठून गेली ना, तशें म्हणप समा जावचें ना. तोच उठून आयलो. तिजो मार्ग वेगळो, ताजो वेगळो. पन्नास वर्सांच्या काळांत आपल्या मार्गान तो खंयचो खंय पावलो. ती खंय पावली आसत? घडये त्याच मूळच्या तिस्काचेर अजून उबी आसा जायत. खंयच्याय एकाद्रचा नाजूक खिणाचेर तिका ताजो उगडास येता काय?

येतलो अशें ताका दिसना. तशी ती ताका वळखता. तांच्याच शेजरा ती रावताली. ताजे परस पांच–स वर्सानी व्हडली आसूंये. भुरगेपणांत तिका पळयल्ली तेन्ना ती घागरो पोलक घालताली इतली ताका याद जाता. तेन्ना तो निकलोच शाळेंत वचूंक लागिल्लो ती शाळेंत वचना आसली. थोडें भोव शिकिल्ली. चलयेन चड शिकपाची गरज ना अशें त्याकाळार लोकांक दिसतालें. गांवभर तिची तोखणाय जाताली. मान मर्यादेची चली म्हणून बायलो तिक वाखाणटाल्यो. सदां हांसत्या तोंडाची.

फुडें एक दीस तिजें लग्न जालें. आनी ती घोवागेर गेली तेन्ना ताजी पिराय आसून आसून आसत धा बारा वर्सांची. तिगेल्या लग्नाचो ताका उगडास जायना. शेजारच्या घरांत ती आसतन तिजेकडेन ताजो केन्नाच संबंद आयलो ना. देखून लग्न जाव ती घोवागेर गेली तरी ताजें मन रितें जालें ना.

एक दीस अचकीत ती कुळारा परत आयली. त्यावेळा गांवांत बोवाळ जाल्लो. तेन्ना तो मॅट्रीक शिकतालो तरनाटेपणाच्या हुबराचेर आसलो. ताका खूबशें समजल्याभाशेन दिसतालें, पुण उतरांनी सांगूक येना आसलें. ह्यान पिरायेचेर तिजो घोव मेल आनी विधवा जावन ती कुळारा आयली, इतलें ताका कळिल्लें. त केन्नाच कोणाक दिसली ना. तांगेर कोणय गेलो जाल्यार लेगीत त परक्यामुखार आयली ना.

पुण एक दीस ताणें तिकापळयली. रस्त्यान बता आसत तिगेल्या आंगणातल्या तुळशीमुखार ती निराजन पेटयताली. ती सांजचो काळोख एकेवटच्यान दाटत बतालो आनी फाटीर मेक केस सोडून धवीफुल्ल साडी न्हेशिल्ली ती पेटयिल्ल्या निरांजन मुखार उबी रावन तुळशीक पांया पडटाली. तो खीणभर थांबल तटास नदरेन तिका पळयत रावलो.

त्यावेळार ती ताका वेगळीच दिसली. सर्गांतली अप्स अशीच आसतली अशें ताणें येवजिलें. तो केदो वेळ तिका पळ

राखिल्लो देव जाणा ! तिगेली प्रार्थना सोंपली आनी तिणे तकली वयर केली. उजवो हात फुडें करून तुळशीच्या मुळांतली ओली माती वोटाक लायली आनी तें बोट आपल्या कपलाक तेंकयले... त्या खिणाक तिच्या कपलाचेर ताजो नदर गेली. धवें फुल्ल कपल ताका काळजांत खंयतरी दुखलें. पुण रस्त्यावयल्यान आपणाक कांण पळयना हाजें तिका भान नासलें. सकल मान घालून तिणे तुळशीच्या वृंदावनाक एक प्रदक्षणा घाली आनी ती घरांत गेली.

त्या काळखांत तिगेली धवी साडी पळयतां, पळयतां नाच जाली. सर्गांतलीं अप्सरा काळखांत विरून गेली.

तो खंती जावन घरा आयलो. त्या दिसा तो जेवलो ना आनी ताका ह्रिदय पडली ना. तिजी ती मूर्त . तें धवें कपल रावन रावन ताका येवजतालें. रातभर तो तळमळ्लो, तिजो कसलो गुन्याव ? तिजेकडेन जुवानपण आसा, सर्गाची सोबीतकाय आसा. तिच्या वांटचाक हें वैधव्य फावना. कोणेंतरी कुकमाचो करण घेवन फुडें सरूंक जाय आनी तिज्या कपलाक तिळो लावन तिजे जिणेचें भांगर करूंक जाय; अशी एक कल्पना ताज्या मनाक घेरून रावली.

मॅट्रीकेचे परिक्षेखातीर मुंबय वचपाचो दीस लागीं येतालो. तरी तिचो विचार रातदीस मनांत घोळटालो. ताका मुंबय वचूंकच जाय आसलें. थंयच रावन फुडलें शिक्षण घेवचेलें आसलें. आईलें सपन पुराय करचें आसलें. ताचे आईच्या वांटचांक अशेंच वैधव्य आयिल्लें. आपलीं दुकां गिळून ती ताजेखातीर जियेल्ली. रातदीस कश्ट करून ताका शिकयताली. तो शिकून व्हड जालो जाल्यार आपल्या कश्टांचें सार्थक जातलें आनी सर्गांत तागेल्या बापायच्या आत्म्याक शांती मेळटली अशें ती सदांच ताका सांगताली.

मुंबय वचूंक भायर सरचे आदीं तिका दोळेभर पळोवन घेवची आनी जमल्यार आपल्यो भावना तिका कळीत करच्यो अश ताका दिसतालें.

तो आयकून जाणा आसलो, ती फांतोडेर कोंब्याच्या पयल्या सादाचेर उठता. तांच्या घराफाटल्यान पाण्टो आसा. थंय दीसयभर लोक आसता. गांवचे लोक पाण्टयारच न्हांताले. बायलो थंयच ओलीं उंबळटाल्यो. फांतोडेर पाण्टयाचेर जितो मूस लेगीत नासता असल्या वेळार उठून ती पाण्टयार वता आनी न्हावन ओल्यानी घरा परतता. येतना वाटेंत पारजताचीं ताजीं फुलां पुंजायता. पूजेक आसतलीं. जायते फावटीं ताणें थारावचें, फांतोडेर उठून पाण्टयार वतलों. तिका एकोडी गांठून आपलें मन तिका सांगतलों. पुण रातभर जागून लेगीत फांतोडेच्या वेळार सदांच ताजो दोळो लागतालो आनी मनांतली येवजण तशीच उरताली.

मुंबय वचपाच्या दिसा मात तो ह्रिदलोचना. फांतोड जांवचे आदींच पाण्टयार वचून बसलो. त्या वेळार वाठारांत सगळेकडेन कीण्ण पडिल्लें. झाडाचें पान झडलें जाल्यार लेगीत ताजो आवाज येवचो इतलें कीण्ण. तिजी बाट पळयत तो एका झिलाचे कुशीक लिपलो.

कोंब्यान साद घालो. कावळे रडले. काळोव विरूंक लागलो आनी तशीं संथ पावलां उखलीत ती येता म्हणपाचें ताणे पळयलें. ताजें काळीज धडधडूंक लागले. त्या शीतळ वेळार लेगीत तो हुमेलो ती आयली. ताज्या मुखाव्यल्यान गेली. तो पळयत रावलो... ती फुडें गेली आनी उदकांत देंवन न्हांवक लागली. एके तरूण बायलेचें अर्ध उकतो देह पयलेच खेपे पळयतालो. पळयना तितलो ताका तो सोबीत दिसतालो.

तिजेसरी वचपाचें थारावन तो झिलांतलो भायर आयलो सुक्या पाल्याचेर पांय पडटना फुडे पालो चरचरलो. तो कांचवेलो तिका धंग नासली. आपले भीतर गुल्ल जावन ती न्हाताली साडयेंचो पदर मकयल उडोवन आंग धुताली. तो पळयतालो. आतां ती ताका अधिकच भाळोवंक लागली. धांवत वचचें आनी तिका वेंगेत घेंवचें अशें ताज्या मनांत आयलें. पुण पावलां जड जाल्लीं, धीर जालोना.

तो फाटी परतल्लो पारजताच्या झाडामुळा पावतकच ताका बेगळेंच येवजले. आपुण उतरांनी जें मांगून धजना, तें फुलांनी सांगपाचें थारायलें तो पारजताच्या झाडाचेंर चडून बसलो

न्हावन ओल्या आंगान ती परतली. तोंडान कसलेंतरी स्तोत्र पुटपुटत, मान सकयल घालून ती पारजताच्या मुळांत आयली आनी फुलां पुंजोवन ओल्या पदराचे होटींत घालूंक लागली. ओली साडी तरण्या आंगाक वेंगावन बशिल्ली. तिगेलें गोरें जुवानपण पळोवन ताज्या आंगात थरथरो भल्लो.

तेय अवस्थेंत ताणे हाडाची खांदी हालयली पारजताच्या फुलांचो पावस तिच्या आंगार झडलो तागेली नदर तिजेर थिराविल्ली. अचकीत फुलांचो पावस झडिल्लो पळोवन ती कांचवेली आनी भियेल्या हरणासारके दोळे वयर करून पळोवंक लागली. ताजेर नदर पडनाफुडें एक अस्पश्ट किळांच तिज्या तोंडातल्यान फुटली. ती पुराय गोंदळ्ली. तिजे होंटीतलीं फुलां जमनीर पडलीं. ओलो पदर गळ्यणलो दोनी हात तोंडार धरून तिणे आपली छाती घांपली आनी लज लिपावन धांवत घरा परतली.

ताका थाकाय येवंक बरोच वेळ लागलो. ताणे आपलें मत तिका कळयिल्लें. पुण ती मोनी भास तिका कळिल्ली काय ?

आज जिणेची सांजवेळ भोगता आसतना ताका तो प्रसंग याद जाता आनी त्या तरण्या मोगाचे भगभग सोसूंक नज जावन तो तळमळटा.

—✿—

प्लॉट

– अेन. शिवदास

म्हा काय हेरांभशेन अेक प्लॉट जाय. प्लॉट जाय म्हण्टकच ॉटाचेर सोबीत बरें अेक घर जाय. घराक बरेशें नांव दवरूंक य. घराचें नांव दोन अक्षरी–कथा जावं व्यथा.

तशी म्हज्या घराक नांवाप्रमाणें कथा आसा– कथा सुख- ाची, बऱ्या वायटाची, हावेसाची, अुत्फक्यांची, कसलीय. खरें ळ्यार व्यथेची कथाय अुणी ओडलायणी नासता. म्हज्या घराक जो लागल्यार थंय विडी पेटोवंक येवपी आमचे कथेंतले नायक तें कमी आमात ?

ह्या म्हज्या प्लॉटांत तशें आजून घरान वास्तव रूप घेवंक ना. नी जो मेरेन खऱ्यानीच घर बांदून जावूं ना तो मेरेन ह्या घराच्यो गटी आरत्यो परत्यो करपाक कसलीच हरकत ना. हांगासल्लों नेलां थंय लायल्यार कोणाक दिसची नात. तीं फक्त म्हजे तकलेंतच ंडावळीन आसतलीं. घराचो फुडो अुदेन्तेक करचो असो विचार ासा. त्याखातीर जाणट्यांक विचारूंक जाय. फक्त जनेलांपुरतेच य, फुडलें दार लेगीत आनी दारात तुळस दाव्यान काय अुजव्यान वूंय जाणट्यांक विचारूंक जाय.

तशीं दारांय बी आजून बसोवपाचो प्रस्न ना म्हण्टकच म्हजे कलेंत बसयिलीं दारां फाटीं फुडें जावं येतात.

खरें सांगपाचें म्हळ्यार ह्या घराक तसो कोण आर्कीटेक्ट वो जनेर बी तसलो कोण ना, फक्त आमा तो हांव. हांव आनी घर. र म्हज्या प्लॉटार. प्लॉट अेकदम बरो, हायवेचेर. घर बांदतकच स्त्यांतली खंयचीय मोटार आडाय, थांबय आनी चलय, वो अशीच सलीय सबकळ बाजाराची आनी पोरांचे शाळेची. हें सगळे जवाडायिल्ले जायरातींत आसलें. नळ गेल्यार बांय आसा काय ासतली तेंवूय बी सांगलां. घरांत कितल्यांक रीग मेळूं येता ताजोय भव सांगला. वायटशें ना. रेल्वे डब्यांतल्या कॅपसिटीसारखे फक्त कतले स्लीपींग, कितली सिटींग आनी कितले हँगिंग तें मात सांगू ासलें, तें सांगिल्लें जाल्यार म्हाका प्लॉट खूब मानवतलो आमलो.

प्लॉटांत आनी एक गजाल आसा. ही गजाल आमच्या सिवी- ायजेशनचे पडबिंब कशी, म्हळ्यार प्लॉटांतल्या पोटांत म्हळ्यार नरखणीत आमच्या अनर खणीतली घाण खयं तरी म्हज्या घरांत ासूंक फावना. म्हाका याद जाता. ल्हान आसतना झिजी हातुणार केल्यार दुसऱ्या दिसा हातुण तर धुतालींच त्या भायर जमिनयबी, आनी वयल्यान सांगताली.

' बाब शाणो, झिजी घरा भायर करप आ. घरांत अशी घाण करीनात.'

आतां जाणट्यापणांत सगळींच जाणटी झिजी घरांतच–

सोड, हाकाच आमो सुधारप म्हणुया. खरेंच आनी अेक प्लॉट. प्लॉट जसो घरांत झिजी करपाचो तसो घरांत मरपाचो, म्हणजे तशें आतांय भायर मेल्यार घरांत हाडटात म्हण पुण मागीर आदीं जशे झीजी करपाक भायल्यान वताले तांबयो बी घेवन तशे वसरेवयल्यान सद्रेर करून मेल्याक तसो आडयाभायर जावं आतां आडयाभितर सरणार चडयतात. मात म्हज्या प्लॉटांत अशा मरणाचीय प्लॉटांतल्या प्लॉटांत वेवस्था करपाक मेळ्ळयार भौशिक मसंडींत वचपाची पाळी चुकतली. कितलो वाज येता जाणां मसंडीमेरेन वचपाक, तांबयो घेवन भायल्यान चलप आनी खयं तर थपकण मारप तसलीच ही मरणाची बसकण !

व्वां! म्हजो प्लॉट असोच आसूंक जाय. बाजार बिजार, शाळा बिळा बारां–बिगां, हॉटेलां–बिटेलां सगळे खंय प्लॉटा तेकूनच आसतलीं. मागीर मसंडींतच कित्याक मरूंक वचूक जाय ?

ही अेक नवे सिविलायजेशनची चळवळ जावं येता. नवी जायरत जावं येता. सगळ्या सुखसोयीनी परिपूर्ण किंवा ' live in your home and die in your own home ' with reasonable rates. तुमच्या बोलसांक खार घाली नासताना !

दादा म्हण्टालो पयर.

कितले पयस चलून वचूंक जाय रे, लागीं तरी ती, पाड पडूं मरूंक पावूं नाका आशिल्लो पुण म्हाका पावपाक फाल्यां हेरांनी येवं नाका ? दादाची ही खंत जर आमच्या बिल्डराक कळत जाल्यार सुखसंपन्न कन्स्ट्रक्शन दादाच्या ह्या महत्वपूर्ण विधानाक जायरतींतल्या घोश वाक्यांची सुवात मेळूं येता.

प्लॉटांत आतां कितें ना ? भाजी मार्केटांत वचपाचो प्रस्नच येना. प्लॉटांत भाजी रोवपाकय मेळटली खंय आनी पयरूच खंय तरी वाचिल्लें, मणिपुराक, जशे मागीलदारा ल्हान ल्हान तळ्यांनी नुस्तें पिकयतात, ताजें फडफडीत काडून तव्यार घालून, करकरीत खातात. आवयस ! रूच आयली.

व्वा ! प्लॉटांत नुस्त्याची पीक ! तुमचो प्लॉट. जन्ममरण आनी मरण प्लॉटातल्या प्लॉटांत. कोणाची कटकट ना. कितलो सुवाची जीण मागीर ? यहाँ जिना. यहीं जळना ! हं, सगळे प्लॉटांत आमतलें. पुण अेक, म्हजो मात्मो प्रॉब्लॅम आसा. तमो प्रॉब्लॅम सामको सादो. प्लॉटांत सगळे मगळे अे टू झेड आमतलें, मात अेक सवय आसा. संवय नाडेपेन्नाची. पुण थोडो नाडीपेन्ना प्लॉटांतल्या प्लॉटांत कोणाक वास लाग नासतना करूं येता.

प्लॉट आनी, रायट प्लॉट फाय स्टार आमल्यार कसो? म्हणजे मागीर तेवूंय मेळटलें. असो कोण तरी प्रमोटर सोदचो पडलो. फाय स्टार प्लॉटांत स्वीमींग पुल आनी नुस्तें पिकोवपाचो पूल two in one करूं येता पुण बाकीच्यो गजाली one in one खरें म्हळचार हो नाद आंताच्या सिवीलायज्ड मनशाक आसूंक फाव आसलो.

महाभारतांतल्या पांडन आपले पयले बायलेक माद्रीची वळख करून दितना My Mrs. meet my Mrs. अशें इतले सोपेपणांन सांगून केदी देख घालून दिल्या, पुण one in two जायना इतलें खरें. कितेंय आसूं, म्हज्या प्लॉटांत हांव one in two करून नवो फोरमुला मांडून प्रोमोटराक नवी मांडावळ करपाची हिकमत दितलों.

तर प्लॉटांतल्या घराची बांदावळ ही अशी आसतली.

घर बांदतकच बटन दामून घर प्रवेश. आनी बिल्डर्साक आनी नवी कल्पना. अेका खिणांत बटन दामात आनी घरांत चलात. व्वा! बटन, म्हणजे सगळें फिटींग भितर म्हळचार वणटी भितर मनामारखें !

मनशाचें मन कुडीभितर कशें, तशें सगळे वायरींग वणटी भितर, आनी ते सारकें मनातले करंट कशें व्हांवतात हे खंय दिसता, मागीर हे आर्टीफिशीयल वायरींग तरी कित्याक भायल्यान ?

बटन दामून न्हावप
बटन दामून खावप
बटन दामून जेवप
बटन ... बटन ..

आरे, बटन दामल्यार बरींच कामां जातात मरे पळे हें अशें आसता. मनीस तकलेन फोन म्हणटान तो असो. म्हज्या प्लॉटाचें येवजितां येवजितां खंय पावलों पळे हांव ! बटन दामल्यार भुरगें लेगीत जल्माक घालूं येता ही कल्पना न्हय, हिकमत केदी क्रांती करतली जाणां ? म्हाका दिसता जगांतले सगळे तसले असलीं घरां भरमसाट दुडू मोडून घेतले. कितले त्रास वांचतले म्हण सांगू ?

हालींच खंय तरी पळयिल्ले. कोंबडेची पिलां बाजारांत विकताले. शेकडयांनी पिलां त्या माकनांतल्यान टप टप करून अेका मोव कापसा आयदणांत पडटालीं आनी पडना फुडें ती चीवं चीवं करूंक लागताली. बाय यो, बाबा यो करून म्हातारेचे केंस विकव तशीं तो तीं पिलां विकतालो. आनी सारके तें, पिलां आनी पोरां हातूंत पोकु दिफेरेंस.

सरकाराक तीच चिंता लागल्या न्हय ? खरें म्हळचार आतां ह्या प्लॉटांत आनीकय प्लॉट झळकूंक लागल्यात. बटन दामून जल्माक येवप हें तर जालेंच, घरांतल्या घरांत बसून अेक बटन दामून जशें शेजाऱ्याचें घर अध्वस्त करप तशें अेक राष्ट्र लेगीत बसलां थंयच्यान बटन दामून अुध्हस्त करप ?

आनीकय अेक आसा. बटन दामून दामूबाबाल्या वण्ट्रातलो निरपणस चटकरून सामको रांदचेकुडींत हाडून मोमतोच तव्यार घालून, बटन दामून तळप.

तशें जाल्यार आतां प्लॉट घेवपच. प्लॉट अेकदम बरो आसा.

तकलेंतले भिरभिरपी विचार घटघट जावन भोंवतणी घुंवपाक लागले. येदी सुखां प्लॉटांत आसात. सगळें भितल्ले भितर. बायलेक सांगल्याबगर रावं नज जालें. सामको भारावून हांव घरांत पावलों. कवडी धुकलून भितर मल्लो तेन्ना खट करून पांख्याक आपटलो. हावं इतलो लांव जालो, सोमतोच पांख्याक आरपार करून म्हजी खोंप गळचांत घालून थंयच्या थंय अुबो जालों गळचांतली खोंप कशी घसरलीना. अब्खी खोप गळचांत घालून हांगा थंय भोंवलों. कोणेंच सभाग्यान बटन दामलोना आनी गळचांतली खोंप काडलिना.

आतां मात म्हाका हो प्लॉट विकपाचो आसा; हावं अब्खो प्लॉट विकतलों. म्हज्याखातीर फक्त साडेपांच बाय दोंड फूट प्लॉट दवरून !

सगळ्यांनी वाखाणलेली आमची नवी

स्कॉच टेरियर व्हिस्की

संवसारांतल्या खंयच्याय व्हिस्कीपरस बरी अशी मान्यताय मेळिल्ली

RHEAA DISTILLERIES

NUVEM - SALCETE-GOA

प्रस्न

– शशांक सीताराम

(देवळाच्या अुत्सवाक पावणी काडपी, अेके अुंचेलेशे सुवातीर अुबो आसा, ताजेर स्पॉट).

पावणीकाडपी : ' हांगा मुजरत आयिल्ल्या भाविकांनो, भक्तांनो नमस्कार.

दर वर्सा येवपी हो दीस पावणेचो. वर्सा वर्सा देवाक ओंपिल्ल्या वस्तूंचो आंकडो वाडत आसा. आतां तर तो खुबच वाडूंक लागला. लोक आंगवण सांगून रावनात तर ती देवाल्या पांयांकडेन हाडून ओंपतात, हें अेक बऱ्याचें लक्षण. अंदू आमच्या देवालयाच्या कार्यकारी मण्डळान अेक निर्णय घेतला. पावणी दोन फावटीं काडप. स–स म्हयन्यांनी अेक अेक फावट. अेक फावटी वर्सासनावरी देवाक ओंपिल्ल्या तरातरांच्या वस्तूंची आनी दुसऱ्या स म्हयन्याक मनीसपणाची.

हय... मनीसपणाची पावणी ! ह्या कांय वर्सांत आमकां अशें दिसून येवंक लागलां की लोकदे वाक जशे तरतरांच्यो वस्तू ओंपतात तशेच देवाचे भेटेक आयिल्ल्यावेळार मनीसपणय देवाच्या पांयांमुळांत सोडून वतात. ७-८ वर्सांपयलीं हांगा–देवाच्या सभामंडपात अेक निकतेंच जल्माक आयिल्लें भुरगें कोणे हाडून सोडिल्लें. खरेंतर तेन्नाच आमचे तकलेंत ही गजाल आयिल्ली. पुणून तेन्ना मनीसपण देवळांत सोडून वचपाचे प्रकार अदींमदीच घडटाले. हें सोडिल्लें मनीसपण आमी देवाचे कोठयेंत सांबाळून दवरताले. पुणून आतां कोठयेंत दवरपाक लेगीत जागो ना अितले हे प्रकार वाडल्यात. कोठयेंत कितलोय तेप अुल्लें म्हुण हें मनीसपण पाड जावचें ना. ताका कीड लागची ना, जांव तें पोल जावचें ना. पुणून कोठयेंत जागोच ना जाल्ल्यान आयज तें आमकां पावणेर काडचें पडटा. आयज सगळेंच मनीसपण पावणेर काडप शक्य ना अितलें तें चड जाल्लें आसा. ह्या मनीसपणातय नाना प्रकार दिसतात. राजकर्त्यांनी, सरकारी अधिकाऱ्यांनी, आमदार खासदारांनी सोडिल्लें मनीसपण, भाटकार–मुंडकारानी सोडिल्लें, दादल्यांनी सोडिल्लें, बायलांनी सोडिल्लें, मनीसपण, अशे आनी कितलेशेच प्रकार. आयज आमी आपल्याच सोयऱ्यांकडेन वागतना मनशान सोडिल्लें मनीसपण पावणेर काडपाचें आसात.

अेक खरें, जाणी मनीसपण सोडलां वो जांचेकडेन मुदलांच मनीसपण नां, ते मनीसपण कशेंच पावणेर घेवचें नात. सदांचें पावणेत आनी हे पावणेत हो अेक व्हड फरक. जाचेकडेन जी वस्त ना, ती वस्त मनीस घेता; पुणून मनीसपण मात घेतिल्ल्या मनशाकडेन मनीसपण आसलेबगर तो मनीसपण आपणावपाचें धाडस करचो ना.

आनीक अेक, ही पावणी घेतना तुमी आमकां कांय दिवप ना. पावणी फुकटांत घेवपाची. फकत मनीसपण आपणावपाचें. हांगा जमिल्ल्या लोकांनी तें आपणावन आमकां आनी देवाक अुपकारांत दवरपाचें.

ही पावपी काडटां काडटां हें मनीसपण कशे प्रकारचें, ह्या मनीसपणात कितली शक्त आसा हें तुमकां कळचेखातीर मनीसपण सोडले अुपरान्त तो मनीस कसो वागलो हे आमी सांगतले. अेक पळयात, फुग्यांत वारो भल्लो, फुगो फुगलो. आमकां फुगो फुगिल्लो दिसता, वाऱ्याचें म्हत्त्व तकलेंत येयच ना. पुणून फुग्यांतलो जर वारो सोडलो जाल्यार वाऱ्याक लागूनच तो फुगो, फुगो कसो दिसतालो हें तकलेंत येना. तशेंच मनीसपण सोडिल्ल्या मनशाली वागणूक पळयतरींच मनीसपणाचें म्हत्त्व आमकां कळटां.

मनीसपण पावणेर पावता ..
मनीसपण पावणेर पावता ..

(पावणेकारावेलो स्पॉट ल्हवू ल्हवू अुणो जाता त्याच प्रमाणात ' मनीसपण पावणेर पावता ' ल्हवू ल्हवू जायत वता. माचयेर काळोख, माचयेर कोनसो अुजळपाक लागता. कोनसो अुजळचे पयलीं काळखांत आवाज येतास.

– अूठ, अूठ रे.
– कितें जालें ?
– अूठ पळोवया...

(कॉटीवेल्यान गडबडेंत अुठिल्लो आवाज. कपड्यांची सळसळ. अंधूक अुजवाडांत अेक बायल आपल्या आंगार गडबडेंत कपडे चडयतना– ब्लावजाचीं बटना लायत पदर खांदार अुडयतना, साडी सारकी करतना दिसता. दादलो घुसपला. अुजवाड वाडत वता.)

ती : विनय जनेलांत तकली घालून आशिल्लो.

तो : कितें ? (जनेलाकडेन पळयता. थंय वचून अेक व्हिस्त मारून येता) तू तो न्हिदला म्हण्टालें न्हय गो ?

ती : हांव बेडरूमात येतना तो न्हिदिल्लो.

तो : वचून पळय. (दोगांय घामाघूम जाल्यांत. ती कांय वेळ कॉटीरच बसता. मागीर निश्चय करून अुठटा, भितर वता.)

(काळोख– वाडत्या अुबवाटांत ती विनयालें चादर ओडून अुडयतना दिसता. विनय न्हिदेचें सवंग घेवन पडिल्लो आसता. चादर ओडटकीर लेगीत तो उठना. ती रागान सळसळत उबी आसता. ताज्या पायांक धरून ओडटा. विनय अुठटा. आतां पुराय अुजवडा)

ती : जनेलाकडेन कित्याक गेल्लो रे ? कितें करतालो ?

विनय : कांय ना ममी.

ती : कित्याक गेल्लो ?

विनय : गेलों ना ममी.

ती : खरें सांग.

विनय : ना ममी.

ती : तूं तसो आयकुचो ना. तुका– (ती हेवटेन तेवटेन नदर भोंवडयता. तिका कोनशाची कपडे सुकोवपाक घालपाची बडी मेळटा. ताणेच ती विनयाक मारूंक लागता–)

विनय : (मार चुकयन) नाका, मारूं नाका ममी .. नाका ममी मारूं नाका (मार पडत आसा. असहाय जावन) हांव डॅडीक सांगतलों.

विनय : (मार चुकोवपाचो यत्न करीत हेवटेन तेवटेन धांवंक पळयता. ती ताका धरून दबरता) नाका ममी. मारूं नाका ... हांव डॅडीक सांगना. मारूं नाका गे ऽऽ (मारत रावता, डॅडी ऽ डॅडी ऽऽऽ (मोठमोठ्यान रडटा)

ती : तुका सोडचें ना हांव. कित्याक गेल्लो थंय ? सांग पयलीं. राव. मिरसांग घालतां तुज्या दोळ्यांत (ती ताका ओडत भितर घेवन वता. अुजवाड कमी कमी जायत-वता आनी काळखांतच.

विनय : नाका ममी ... नाका ऽऽ सागतां– डॅडीन सांगिल्लें.

ती : कितें सांगिल्लें

(स्पोटांत तीं दोगांय)–

विनय : डॅडीन सांगिल्लें सांगिल्लें... आपुण चार दीस घरा आसचों ना. ममीचेर लक्ष दवर म्हुण. तूं रातचें खंय आसना तें सांग म्हुण... कोणूय आयल्यार सांग म्हुण.

ती : तू सांगतलो– सांगतलो ? चड सुबेज जाला तूं. तुका सोडचें ना हांव. (ती ताज्या दोळ्यांत मिरसांगेची पुड मारता. विनय किळांच मारून रडटा डॅडी ऽऽ डॅडी रे, डॅडी रे ऽऽ ती तागेल्या तोंडात गुड्डो मारता. तिडकीन वता. अजिबात काकुळट नासतना)

(ती आपल्या बेडरूमान आपल्या प्रेमिकावांगडा)

ती : देवदत्त, कळ्ळें तुका कितें जालें तें ?

तो : कळ्ळें.

ती : आता कितें ? तरी हांवें तुका सांगिल्लें, लायट ऑफ करूंया म्हुण... विनयाल्या डॅडीक आमचो दुबाव आयला. ताणेच सांगिल्लें विनयाक. विनय आमकां त्रासांत घालतलोच. तो ताज्या डॅडीक सांगतलोच. आता पळयलें ना तुवें– डॅडीच्या नांवान हुयेलीं मारतालो तो (तीआजूनय जळफळत आसा.) कितें करया ? (अुजवाड मंद जायव वता. त्या मंद अुडवाडांत ताचो प्लन शिजता, काळोख. स्पॉट पावणेकाराचेर)

पावणेकार : अुपरान्त सात आठ दीस विनय बेपत्ता आसता. पुलिसेंत तशी कागाळ वता. विनयाल्या डॅडीपरमय चड शोक ताजी ममी करता. आठ दिसांअुपरान्त अेका अटंग रानातले तळयेंत विनयालें अुफेल्लें मडें मेळटा. जे कुडींत विनयालो खून जाल्लो, ती कूड गोळाक लागिल्लें आवयपण पळयिल्ल्यान भिवन थरथरत आसा.

मनीसपण पावणेर पावता...
मनीसपण पावणेर पावता... अेक वार
मनीसपण पावणेर पावता... अेक वाऽऽर
मनीसपण पावणेर पावता...

(अुजवाड मंद जायत वता–काळोख–माचयेचो अेक वांटो अुजवाडटा– देव पुजपाची कूड दिसता. मंडप आसा. वण्टीर देवाचे फोटे आसात. समय पेटला. अेकटो ध्यानस्थ बसला. गळ्यांत रूद्राक्षाची माळ, आंगार–कपळार गंधाचे पटे. ताजेमुखार अेक ३–१४ वर्सांची चली ध्यानस्थ मनशाक अभिमान मिश्रित अजापान पळयत बसला. ध्यानस्थ मनीस दोळे अुगडटा. स्वता भोंवतणीच दोन तीन फेरे घालता. देवाक हात जोडटा. बशिल्लो पाट काडून दवरीत)

तो : कितें गो !

चली : कांय ना. हरशींच ...पळयतालें. काका तुजेकडेन खरोच देव अुलयता ?

तो : (काका मंद हांसता)

चली : काका, भार येता खरो ? भारार देव अुलयता हे खरें ?

काका : खरें म्हळ्यार ?

चली : खरें म्हळ्यार खरें. काय 'गोट्या'तल्या सारकें तें ? गोट्यातली काकी फटींचो भार काडटा.

काका : शिनेमातलें पळोवन अुलयता म्हगो ? शिनेमात कितेंय दाखयतात. भुरग्यांनो शिनेमा पळोवचे न्हय ते ह्या खातीर.

चली : तुका खरोच देवालो भार येता ? देव अुलयता तुजेकडेन ?

काका : म्हजेकडेन अितले लोक येतात ते पिशे म्हुण हय गो ? (तुका फट दिसले ? (काका सूचक हांसता)

चली : (बडबडेन–अुमळशिकेन) हांव परिक्षेक पास जायत काय ना म्हुण सांगत देव ?

(काकाली नदर पुतणेवेल्यान फिरता. निकतेंच तें वयांत येवंक लागलां. ताच्या अुंचमकयल भागांवेल्यान काकाली नदर फिरतां फिरतां तातूंत विखार येता.

काका : सांगचोना कित्याक ? देवाचेर विस्वास आसा मुगो ? तो पयलीं दवर. देवाचेर अविस्वास दाखोवन विचारिल्ल्या प्रस्नाक देव जाप दिना.

चली : काका .. तूं विचारता देवाक-भारार ?

काका : तुजेखातीर अितलेंय करूंक जायना जाल्यार हांव काका कसलों ? विचारयां आं. पुणून भाराची गरज ना. हांव ध्यान लावन बसतां. आनी देवाक आपयतां. तो तुज्या प्रस्नाची जाप दितलो. (भितल्ले कुडींत वचून येता आनी काका ध्यानाक बसता... कांय वेळ वता... दोळे अुगडटा. मुठींतल्या निर्माल्याची विभूत जाल्ली आसता.. चलयेक अजाप)

काका : तुवें फुडल्या वर्सा परतें परीक्षेक बसप बरें.

चली : (रडकुरें जावन) हांव पास जावचें ना.

काका : जावंक शकता. पुणून देवान मागता तें तुवें देवाक दिवंक जाय.

चली : दितां हांव.

काका : तशें दिलें म्हुण जालें ना. तुवें तें दिलां म्हुण कोणाक कळूंक जायना. आअी–बाबाक, काकीक आनी कोणाकूच.

चली : हय काका. हांव कोणाकूच सांगचें ना. म्हाका पास जांवकूच जाय. नाजाल्यार बाबा म्हाका दवरचो ना.

काका : हांव जाणा तें. पुणून तुका पयलेंच सांगलें. मागीर काकान आपणाक फटयलें म्हणटलें तू. देवान फटयलें म्हणटलें. आयक. दिल्ली आंगवण गुप्त आसूंक जाय. जर तें तुज्या तोंडांतल्यान कोणाकूय कळ्ळें, जाल्यार देवालो राग तुजेर पडटलो. मागीर तूं केन्नाच पास जावचें ना. ही भिरांत आसा तातूंत.

चली : जाता काका. हांव कोणाकूच सांगचें ना. देव कितें मागता काका ?

काका : देव तुकाच मागता !

चली : म्हाका ?

काका : हय तुकाच. तुवें तुकाच देवाक ओंपपाचें. आसा तयारी ?

(तें ओग्गी रावता... गोंदळता)

पळय हांवें तुका पयलींच सांगिल्लें. जावचें ना म्हुण तुज्यान.

चली : ना काका. तयार आसां हांव; पुणून म्हाका हांवें कितें करून देवाक ओंपप तें कळ्ळें ना.

काका : तें हांव सांगतां. पुणून तुजी तयारी आसा काय पळय. आनी मागीर ती गजाल कोणाक कळूंक अुपकरना.

चली : हय काका पुणून हांव पास जातलें न्हय ?

काका : (परतें सूचक हांसता) चल यो तर (ताका घेवन भितल्ले कुडींत वता.)

(अुजवाड मंद मंद जायत काळोख)

(स्पॉटांत परत पावणेकार)

पावणी काडपी : धुवडी काकाचेर विस्वासून आपले आपणाक देवाक ओंपता. ते कंवळे चलयेच्या अज्ञानाचो आनी स्रद्धेची लाव घेवन अेक काका चली समान आपले धुवडेचेर अत्याचार करीत रावता. ती त्यां अनाकळनीय प्रकाराक विटून वता. पुणून भंय आसता. कोणाक सांगूक जायना. देवाली आंगवण दिली ना जाल्यार केन्नाच पास जावचें ना. ती परत परत काकाक विचारता. आंगवण पावली ना ? काका म्हण्टा, ना. आजून थोडो तेंप. अेक कंवळी चली वासनेच्या हुलपान करपून वता.

मनीसपण पावणेर पावता ..
मनीसपण पावणेर पावता दोन वार...
मनीसपण पावणेर पावता दोन वार!
मनीसपण पावणेर पावता–

(ल्हवू ल्हवू काळोख. मायेच्या अेका अर्दान ल्हवू ल्हवू अुजवाड वाडटा. हॉस्पिटलाचे खाटीर अेक २९–३० वर्सां पिरायेची चली न्हिदल्या. ती आंगभर लासल्या. त्या वेदनांनी ती मदींच वळवळटा. भोंवतणी कांय मनशां तांतूत बापूय, भाव, अेक पोलीस आनी अेक पोलीस ऑफिसर. बापूय चलयेक फुमलायता धीर दिता.)

बापूय : तूं भिनाका, आमी आसात हांगा सगळे. तूं खरें कितें तें सांग... शमी पळय, शाण्यावरी वागूंक जाय तुवें .. तूं कांय भिनाका तुका कोणूच कांय करचो ना.

(चली दोळे अुगडटा. परती धांपता. मागीर थोड्या वेळान दोळे अुगडून पळयत रावता. कांयच अुलयना)

बापूय : शाणे तें... अशें करीनाका. तुका आतां कोणाचेंच भंय ना. हें पळय अिन्सपेक्टरान सायब आयल्यात. तांकां खरें खरें कितें तें सांग. आता तूं आमच्या वांगडा आसा. आतां आमी तुका परते तांच्या तोंडांत घालचे नात... ना गो.

(बापूयच दोळ्यांत दुकां हाडटा. चली हुंडकेता. बापायक पळयता. अुलोवंक करता. पुणून अुलोवंकच शकना. हुंडकेत रावता).

– रडूं नाका. जाल्लें जावन गेलें. आतां तरी तुवें धिरान रावंक जाय. भिवन राविल्ल्यान ही गत (बापुय हुडकेता) (ती दोळे अुगडटा. बापूय नदरेनच बळगें दिता.)

चली : हांव लासलें.

अिन्स्पेक्टर : सांग सांग तूं. कशें लासलें ?

चली : लासलें, अुजो लागलो.

अिन्स : हं .. कशें लासलें. घडलें तशें सांग. भिनाका. (चली कांयच जाप दिना परत दुकां गळयता सगळे फुमलायतात)

चली : कॅरोसीन रकयलें.

अिन्स : कोणे ?

चली : मामीन.

बापूय : तें मांयक मामी म्हण्टा सायब.

अिन्स : तेंच अुलोवूं. तुमी मात्शे ओगी रावात पळोवया... तुवें बोवाळ माल्लो ना ?

चली : तोंड बंद... गुड्डो मारिल्लो. हातपांय बांधिल्ले.

अिन्स : कोणे ?

(चली परतें मोनें जाता. असहाय जावन बापायक पळयता. दुकां दोळ्यांत)

बापुय : बाये अुलय गो (तागेली भास समजून, बळगें दीत)

चली : हाणी

अिन्स : घोवान ?

(चलेची तकली हयकार दाखोवन हालता. ती नदर फिरायता) कित्याक अुजो लायलो तुका.

चली : हांवें घराकडेन पत्र घाल्लें. तें कळ्ळें तांकां.

अिन्स : कितें बरयिल्लें ?

चली : म्हाका त्रास जाता म्हुण.

अिन्स : कसलो त्रास जातालो ?

बापुय : ८५ तोळे आनी ४० हजार करदक्षणा घालून दिल्ली हांवें हाका. मागीर स्कूटर मागली दिली. मागीर–

अिन्स : तुमी ओगी रावात पळोवया.

चली : तांकां फ्रीज जाय आसलो... बाबान दिलो ना. (काळोख)

(स्पॉट पावणी काडप्याचेर हालता)

पावणी : मनीसपणाची पावणी पावता–

काडपी : पावणी पावता ऽ दोन वार. दोन वा ऽ र. दोन वा ऽऽ र हे पळयात. हांव मा करूंक सोदतां. आयचे वरी हांगा पावणेक केन्नाच घडूंक ना. पावणी घेवपाक कोणुच फुडें येना. अशें केन्नाच घडूंक ना. आयजय घडूंक फावना. पावणेची परंपरा खंडीत करूं नाकात.

(पयस कोनशाच्या स्पॉटांत अेक मनीस दिसता. हात फाटल्यान बांदल्यात. दोनूय पांयूय बांदल्यात. तो दिमी घालून अुलोवपाचो यत्न करता.

पावणी काडपी आनी हो, दोगूय वेगवेगळ्या स्पॉटांत.

दिमी घातिल्लो : पावणी म्हाका पावली. (आवाज चिडुल्लोसो).

पावणी काडपी : (पापणीकाराचें मुखामळ फुल्लां) कोण तू ? खंय आसा ! मुकार यो.

दिमी घातिल्लो : हांव कोण ? कोणूय समज. जाका खून म्हळ्यार कितें हें आवयन आपलो गळो अंदिता मेरेन कळ्ळें ना तो ११–१२ वर्सांचो विनय समज. काकाले वासनेक हुलपल्ली करपल्ली अजाण, बाबडी कंवळी घुवडो, म्हण. ना जाल्यार मरणाचे घडेर आसतना लेगीत आपणाक कोणे लासली हें सांगतना जिची जीब भितर ओडटाली ती अबला शमी म्हुण अुलो मार. कोणूय म्हण हांव तांच्यांतलोंच अेक. हांव हांगा आसां. हांगा–हेवटेन सकयल पळय. ह्या हांगा अेकठांय जाल्या लोकांच्या पांयांपोंदा चिडुल्लों हांव मुखार येंवू ? ना. जमना तितलें बळगें आसल्यार हांव असो... असो कित्याक चिड्डून अुरपाचों ?... तू म्हज्या नावान पावणी पावय. सा म्हण. म्हाका पावतली ती.

पावणी काडपी : अशें हांगा केन्ना जालें ना. हांगा पावणी पावन घेवपी मुखार येवन आपलें नांव सांगून पावणी पाबोवन घेता !

तो : हांगा मनीसपण केन्नाच पावणेर काडिल्लें ! पावणेच्या प्रकारांत बदल जाला. पावणेकय बदल जाला. पावणे पावोवन घेतनाय बदल जावं येता. दुसरें, म्हज्याबग आनी कोणूय ती पावोवन घेवपाचें चिन्नय ना. हांव पावोवन घेतां... म्हाका गरज आसा म्हजेमदीं केन्नाकेन्नाय मुडाच भावना पेट्टा. रसरसता. म्हाका खंयतरी भिरांत दिसूं लागल्या. हो वाडटो अन्याय सोसतना म्हज्यांतलें मनीसपणा सोंपत म्हुण. म्हाका गरज आसा मनीसपणाची आनी दुसरें अेका म्हाका त्या तुज्या भितर बशिल्ल्या देवाची-हें भक्तमन्ड पुंजायला त्या देवाची काकुळट दिसता... स कर. पावणे म्हाका.

हय .. आनीक अेक विचारतां. त्या गर्भकुडींत बशिल्ल्या देवाले दोळे आजून तुजेकडेन पावंक नात, पावणेर काडचे खातीर ?

(दिमी घाल्ल्या मनशावयलो स्पॉट पयलीं वता. पावणे काडप्याक, त्या मगशाक कितें म्हणपाचें आसा आनी त तसो कित्याक म्हणटा हें कळटा. ताज्या प्रस्नांतल्या पावणेकार आजून भायर पडलो ना. कांय खीण स्पॉ पावणीकाडप्याचेर. काळोख.)

❋ कोंकणी भाशेक उजळ फुडार आवडेतात ❋

भोलानाथ सॉ मिल्स

निरंकाल रोड,

फोंडे–गोंय

फोन : २१९ (घर)
१५९ (ऑफीस)

सोपूत

– रजनी भेंब्रे

(खांद्याक बोटवे लावन उलउलयत माचयेर येतात. इनासाच्या हातांत बॉल आसा.)

इनास : युसूफ ... ... आय किलां ?

युसूफ : कितें रे ? इनास कितें जाला तुजें ?

इनास : आतां गारा को वचपा ना ... ...

अमिर : इनास, कित्याय कितें उलौंक नाका. घराकडेन कित्यांक वचवाना ?

युसूफ : इनास, जालां कितें तुजें ?

इनास : अमर, अमर, कितें जालां आनी म्हुण्टा ? आरे ह्या सोरांक आनी टिचेरीं को दिसबोर Exam घेवन वाज येनारें ? कितेंरे बाबा SSSSS दिसबोर हो Teat तो Teat म्हुगे जाल्यारी III U. T. सामके वाटकुळें जालां. (ॲक्शन)

युसूफ : इनास कितल्या Subject फेल जाला रे तू ?

इनास : युसूफ ... .. कितू Subject फेल म्हुण इश्वानाका. कितू Subject पास जाला काय म्हणोन इचार.

अमिर : इनास हांव जाल्यार तीन Subject दिस्त कांठार पास जालां पूण मार चुकूं येवूं ना म्हाका.

युसूफ : अमिर म्हगेले जाल्यार इनासा बशेन सामकें–पामकें वाटकुळें जाला. खऱ्यानीच घराकडेन कॅलेंडर कशें दाखवप तेंच कथणांजाणां. अमिर आरे म्हाका अब्बान पैलींच सांगलां.

इनास : कितें सांगिलां ?

युसूफ : अंदू पास जायना जाल्यार बुटां दुकानार बसपाचें.

अमिर : युसूफ, तशें जाल्यार मजा. पाडपडूं हें शिकप. मजाच मजा न्हिरे इनास ?

युसूफ : (चाळयता) मजाच मजा कितें मजा ? इश्लोकांत आयल्यार काय बरें खेळूं मेळटा. हांव जाल्यार अम्माक खूबदां फटी मारून क्लास आसा म्हणून ग्रावंडार गेलां खेळपाक. घराकडेन कोणेय काम सांगल्यार अभ्यासाचें नाटक करप. करता कोण रे ... ... मारप चिकाना.

इनास : अमिर, आयकिता, म्हाका जाल्यारी पायन पोलीं सांगिलां ... केसो बोस आठई पास कोर मागो तितिवा बगले कुयटा घाट्टां म्हणोन ... ... टिं–टिण–टिण

अमिर : (अजापान) खऱ्यानीच तूं कुयटा वतलो मागिर आनी तूं आमकां आयकता ?

इनास : भिना कायरे तुमकां सोगल्या आमिगांको हांव होरेन घोडचाळां हांट्टां. पुण म्हाका भिरांत दिसोता ह्या सातयेची. आमगे क्लास सोराचें सोपोन लेगिन पोण्णाका. पाडाच पोडों तेजें.

(धाकू येता .. ...)

धाकू : कोणा पाड पोडों म्हण्टारे इनसो ? हांयेन दुस्त आयकलां सरा म्हणोन अशें म्हण्टारे ? मारोती पातक घालतलो. कयटं तुका.

युसूफ : आयली रे धाकूची पत्रावळ. आतां उलोवपाचें ना. सी. आय. डी. सी. आय. डी.

धाकू : म्हाका सी. आय. डी. म्हण्टा. व्हडलो झेतसो मारता मरे. तुगेभाव पुलिस आसा म्हणोन काय कितें रे युसूफ. दिसभर पटचानी मार पट्टा म्हणोन बरो –

अमिर : धाको तुका दादोलो पडना रे ... ...

धाकू : पडल्यार पोडवें तुमकां लागना. तुमगेलें तुमी पळेयात.

इनास : आमगेलें आमी चोयताई रे धाको. आमगे रिझल्ट तुका चोय म्हुळा ?

युसूफ : हांव जाल्यार घरा येन्ना रिझल्ट दाखोवपार ना पेटे खांची लिपोवन दवरतलों. (ॲक्शन करून दाखयता)

धाकू : म्हाका जाल्यार रिझल्ट दाखोवप म्हळचार पोटां गुळो येता. जाणा इनासो हांव जाल्यार रिझल्ट दादोकडेन दिल त्या बराबर बो चे फाटल्यान लिपोंन बसतलो. मागिर दादो कसो मारतलो ? म्हाका मारल्यार बो क लागतलो मार. आयडिया कशी आसा. S S S S S

इनास : पाड पडी त्या रिझोल्टा फोव यो. आतां आमी. फेडचा मुरे. ऽऽऽऽऽ.

अमिर : हय ... ... वय ... ...

युसूफ : चल खेळया तर ... ...

इनास : हायें बॉल पियाँ घाडिला ... ...

(भितर वतात) (बोटवे दवरतात)

दूसरो देखावो

धाकू : आमी गडी वांटोन घेवया मरे अमीर ?

इनास : घेवोया मुरे. येड कित्या को ? चोय मुग्ये बॉल म्हुण्टरीरू हांव कॅपटन. सोमजीलां ?

धाकू : वारे वा इनास ... व्हळो तूं ? हांव कॅपटन खंय ? सदीं सदीं तुका चॅपटन करप ? आनी आमी केन्ना जावपरे चॅपटन ? हय बरो आसा ...

युसूफ : चॅपटन खैंय चॅपटन (सगळे हांसतात) आरे हाका कॅपटन लेगिन म्हणू येना आनी आपल्याक कॅपटन कर खैंय (चाळयतात) धाकू, धाकू कॅपटन म्हणरे ... ...

धाकू : युसूफ हांव पळय आं तुमकां (अँ अँ करून रट्टा) म्हाका येडायता ते. (बुशकोटाच्या हातांक नाक पुसता) हांव फाल्यां दादो विस्कोलांत घेवन येतलो. पळयात ... तुमकां कसो मार घालता तो ..

युसूफ : धाको ... धाको ... तुका बिन दादो चड मारता रे

धाकू : मारता ... (रडें थांबता) अमिर अेक दिस किदें जालें जाण ... हांयेन दादोल्या बोलसांतले चार आणे काडले.

अमिर : मागिर कितें जाले ?

धाकू : कितें जालें काय म्हणून विचारता ? (चाळयता) आरे म्हागेल्या दादोक दुस्त कयळें न्हरे ? म्हाका पळय तेणें मार घातला ... म्हका कलमवातच जालें न्हुरे ... मुतों ...

इनास : पाड पडों ह्या धाकू गे फोबरी ... आरे आमी हिंगा फोबरी करों येयले नाय. फेळों येयल्याय फेळों.

अमिर : खऱ्यानीच रे इनास. ह्या धाकूल्या खबऱ्यांक अर्थना.

युसूफ : आरे सगळें खरें पुणून राजू खैंयरे ? तो येवूंकच ना मरे.

धाकू : खऱ्यानीच, ह्या दिमानी राजू आमच्या वांगडा खेळोंक यवंकना सो कितें जालां तेजें ह्या दिसानी ? युसूफ, तुवें कितेंय म्हटलें बीन काय कितेंरे तेका. तो बरो भुरगो हां ...

इनास : बरो भुरगो .. हांव जाल्या म्हुण्टां सामको पिडचार.

धाकू : शी ... शी .. कित्याय कितें उलोंक नाका. चक्रम बीन जावूं ना मरे तूं ... राजू पिडचार खैंय, तूंच पिडचार तो.

इनास : आरे बरो पार्ट घेता मुरे राजूची. धाको आयक राजू बरो भुरगी जाल्यारो तो सोकागी फुडें राष्ट्रगीत कित्या चुकोयता ? कितू दिम जाले रे तो लेट येता.

अमिर : आंगी राव आं इनास. कित्या कितेंर म्हणू नाका.

इनास : आरे खोऱ्यानीय. कितें जाता जाणां–तूं मी मोगळे मुखार राबताय ....

धाकू : हांव मोटको म्होणोन रावतां आ. बेरटचा बेरटचे मुखार रावतां म्हणोन म्हाजेर घाल नाका. टिचरीन सांगला. म्हाका मुखार राव म्हणोन.

युसूफ : आरे तुका कोणें कितें म्हळां ? पाड पडिल्लो मदीं–मदीं उलयता. पीडा खैंची. चलूं लाग पळोवया (आंगार वता)

धाकू : म्हाका चल म्हण्टा आं ... आं. (रट्टा)

अमिर : ह्या धाकूली म्हणून मदांच रड आं. पनवत खैंची. काय बरो इनास राजूली खबर सांगतालो. इनास सांग पळोवया राजूलें कितें जालें ?

इनास : आरे तेंच सांगतालों. आयकिलां हांव लायनीक माच्छों निमणों राबतां. निमणों रावल्यारो चोणेबी खायल्यारी कोणा दिस नाय हूँ रे ...

धाकू : (रूच काडून) इनास तूं चणे हाट्टारे मंदी. तशें जाल्यार फाल्यांच्यान हांव तुज्याच म्हऱ्यांत रावतां.

अमिर : जीब हुळहुयळीं. सामखोरे लेंवटो हो धाकू शी ... शी ..

युसूफ : मदीं मदीं उलयता हो धाकू. इनास मागिर राजूचें कितें जालें ?

इनास : आमगे राष्ट्रगीत सोंपकीर जेन्ना लायनीन आमी क्लासांत वयतात तेन्ना धांपेत धांपेत म्होज्या फाटल्यान लायनी राबून येता.

अमिर : आरे तुवें ताका वेळान कित्याक येता काय म्हणून विचालें ना.

इनास : हांव सोट्टां हाये तेका जायते पाटी इच्चालें. बिस्टें म्हण्टा न्हुरे आनी मागी घाम पुसयत राबता.

युसूफ : अे– अमिर–राजूलें घर वयल्या वाडचार न्हीरे ?

अमिर : हय – हय – वयल्या वाडचार.

धाकू : आनी राजूल्या घराकडल्यान अेक ऑल्त (करून दाखयता) काडल्यार म्हगेले घर.

युसूफ : तुगेलें घर आमकां नाका रे धाकू (दांत ओंठ खायत तापता)

धाकू : म्हगे घर कितें राजू घरापरस पास्ट आसा. तेगेले बारकेल्या नळचांचे जाल्यार म्हगेले कोलवाचें.

अमिर : हो धाकू ... तकलीच फोडपाची हाणी ... आरे आमकां घरां नाकारे (रागान) राजू जाय राजू. युसूफ सांग पळोवया, राजूल्या घराची तुवें कित्याक वामपूम केली.

युसूफ : गेल्या आयताराक हांव सोयऱ्यांगेर गेल्लों रे तेन्ना राजू–सकयल्या वाडयावेल्यान तिळमांनचो येतालो.

अमिर : ह्या दिसानी राजू आमच्या वांगडा नाच न्हीरे खेळपाक ? शेंत कितेंय पुण चल्लां ताजें.

इनास : म्हाका जाल्यारी दुबाव मात्ता, राजू कॅरम बी फेडों वोसना

मुरे ? पोर टिचेर सांगताली– इस्कलां तू भुरगे पोशे लावन कॅरम केयटाय. फुंय.

अमिर : काय तो गडगडो बी खेयटा ?

युसूफ : म्हाका जाल्यार दिस्ता राजू शेर्त V. D. O. पळौंक वता जातलो.

अमिर : पूण युसूफ V. D. O. पळौंक राजू पैशे खैंच हाट्टा.

इनास : पायके बोल्सां तू काट्टा आस्तलो !

अमिर : म्हाका जाल्यार खरें शे दिसना.

युसूफ : खरें कित्याक दिसना. हांव सांगतांच राजू बापायल्याच बोल्सांतले पैशे चोरून V. D O. पळेता.

अमिर : इनास तशें जाल्यार आमी क्लास टिचरीक सांगल्यार बरें जातलें.

धाकू : चड जालें तुमगेलें आं चड जाले. राजूल्यो चाड्यो करतात. हांव सांगपी वचून राजूक .. चाड्यो करतात म्हणोन... आं आं

इनास : युसूफ ह्या धाकूक बरोच पेटयारे आमी. इतू येड ओगो राबीला आमगे खोबरी आयकिल्याय आनी आतां चोयरे ऽऽऽ

धाकू : हांयेन कितें केलां रे मारपाक. बरे आसात. राजूल्यो चाड्यो टिचरीक तुमी सांगतले आमी मार म्हाका ? हांव दादो सांगोन तुमका मार घालतलों... अ... अं (रट्टा)

अमिर : हि अेक दिसभर रड. धाकू फालच्यान तूं आमच्या वांगडा खेळूंकच येनाका पळौया.

युसूफ : आरे अमर म्हण्टकिच फाल्यां आमी राजूची खबर टिचरीक सांगया मरे.

अमिर : हय तर युसूफ. मा जाल्यार टिचर म्हण्टली तुमकां जर खबर आसलें जाल्यार आपणाक कशें सांगले ना.

युसूफ : V. D. O. पळेता. राव राजूक दिस्त दिवया.

इनास : क्लास टिचर मागीर हेडमास्तरा बगलेक व्होतोलो. आनी अमिर, युसूफ, हेडमास्तर कितें म्हण्टो जाणां.

अमिर : (नक्कल करता) चड जाल्यारे पैशे ? फाल्यां तुगेल्या बापायक घेवन यो इस्कोलांत. आतां वच घरा पुस्तका घेवन. शिकप नाका काय नाका जाल्यार इस्कोलांत कित्याक येतारे ? (सगळे हांसतात)

तीसरो देखावो

(युसूफ, अमिर, इनास, धाकू वर्गाच्या भायर जमल्यात. टिचर येता ... ...सगळे बरोबर गुडमार्निंग म्हण्टात)

युसूफ : टिचर... टिचर... (गोंधयटा)

टिचर : युसूफ कितें जालां रे घुस्पतसो ....

युसूफ : अमिर ... तूंच सांग रे... म्हाका भंय दिस्ता.

धाकू : आतां किस्याक भंय दिस्ता ? (चाळयता)

टिचर : आरे अमिर, युसूफ जालां कितें ? सडसडीत सांगात पळोवया

इनास : धाको तूंवेच सांगल्यार बरें रें बाबा.

धाकू : भियेले मरे ? चाड्यो करतले खैंय (चाळयता) टिचर हांव खरें ते सांगतां. काल हे सगळे राजूल्यो चाड्यो तुमका सांगतले म्हण्टाले. तो पंद्रा दीस जाले राष्ट्रगीताक पाव ना बी.

टिचर : कितें राजूल्यो चाड्यो ? कसल्यो, कितें जालां...

इनास : टिचर राजू सोदां सोकल्या पाडयारी V. D. O. चोपाक वोयता कूंय पायगे बोल्सां तू पौशे चोत्ता मुस्ता.

अमिर : आनी टिचर, गडगडोय खेयटा काय दिस्ता...

युसूफ : सदां आमचे बरोबर आसपी राजू पूण ह्या दिसानी खेळपाक लेगित येना. शेर्त पैशे लावन कॅरम खेयटा दिस्ता.

टिचर : (राजू येता. आपले वांगडी कितें उलयतात तें तो आयकता) राजू... राजू खरें हें सगळें ? तूं पंद्रा दिस जाले राष्ट्रगीताक पावना खैंय ? आनी सानवेळचो V. D. O. पळौंक वता खैंय. कॅरम गडगडोय खेयटा खैंय ?

राजू : (भियेतां) ना... ना हें सगळें फट... हें सगळें फट V.D.O. म्हळ्यार कितें ? आनी तो खैंय दाखयतात केन्ना दाखयतात तें . तें म्हाका खबर लेगित ना.

टिचर : तशें जाल्यार तूं सकाळीं सद्दां लेट कित्याक येता ? सदांच वांगड्यांक सोडून सानवेळचो खंय वता ?

इनास : ओ राजू बाब .. सांग मुरे... सोदां तूं सान अेडाचो आमच्या बराबो फेडपी, ह्या दिसानी खुंय वयता ?

धाकू : आतां बरो लोडो आसा (अॅक्शन) राज्यो खा खाणें...

युसूफ : राजू तुजें सकल्या वाड्यार कितें काम रे ?

राजू : टिचर... टिचर .. (दोळांत दुःखां)
राजू... सांग सडसडीत... ना जाल्यार तुका–

टिचर : हेडमास्तरा म्हज्यांत व्हरतां. V. D. O. पळौंक जाय तुका न्ही ?

राजू : टिचर... हांव खरें तेंच सांगता. टिचर हांव आनी बाबा अेकटेच आस्तात घरांत. म्हजी आई.... म्हजी आई... आई ना म्हाका टिचर (रट्टा)

अमिर : राजू आतां तूं कित्याक रट्टारे ? तुका आई ना म्हणून आमी सगळे जाणांत. त्या खातिर तुवें चोरून V. D. O. पळौंक जाय ?

राजू : अमिर... म्हजे दुःख तुमकां कशें कळटले ? ज्याका आई ना ताकाच कळयाचें म्हजी आई दुयेंत जावन भायर पडल्या. टिचर ती जेन्ना दुयेंत आस्ताली, तेन्ना तीजी सेवा करपाक कोण नासलो. बाबा शिर्दिशेक वचपी. हांव साप ल्हान. आई बरीना, परंवता. तें सगळे कयटालें म्हाका पूण पिरायेन ल्हान आशिल्यान हांव तीजी सेवा करूंक शकना आसलों.... आतां हांव व्हड जाला. हांवे सोपूतच घेतला टिचर कि कोणूय आदार नाशिल्लो मनीस बरो ना. जाल्लो हांवे जर

पळेलो तर... तर म्हज्यान जाता तशी हांव ताजी सेवा करतलों.

टिचर : राजू, हें तूं बेस बरें काम कारता. पुण... तूं कितें सांगूक सोता ? तुका इश्कोलाक येवपाक वेळ कित्याक जाता ? सांगलेंच ना तुवें.

राजू : सकल्या वाड्यार रामबाबाले घर. ताका बायल ना आनी भुरगे शिविशेक लागून शारांत रावतात. रामबाबाक वेळच्या वेळार पैशे धाडटात...

धाकू : आं ऽऽऽऽ तेगेले पैशे तूं चोरूं गेल्लो तर ऽऽऽऽऽ.

राजू : (रागान) धाकू . धाकू तुमकां कशें सांगू हांव.

धाकू : तुवे ते पैशे चोरले तें सांग. न्हूरे इनासो ..

इनास : वारे वा धाकू... आतांची तूं राजूगे पार्त घेतालो मुरे आनी रोकडो फाट पोत्तिता...

राजू : टिचर . टिचर (राजू घुस्मट्टा)

टिचर : राजू (फाटिर हात आंट्टा) हांव तुका कांयच करना पुण कितें घडलां ते सारखें सांग.

राजू : टिचर... अेक दिस आमी सगळे रामबाबाल्या घराकडल्यान वतालो. जाल्यार घरांतल्यान परंबूपाचो आवाज आयकूंक आयलो. याद जाता युसूफ.

युसूफ : हय राजू आमी सगळे बेगि बेगिन घरांत भितर सल्ले जाल्यार रामबाब उश्याक तेंकला, आनी परंवता.

अमिर : हय रे राजू, ताका पांयाक मोठे मोठे फोड आईल्ले. आनी पाय जमनीक लावूंकच जायना म्हणून सांगी.

धाकू : रामबाबाले फोड पळौन आमी सगळे पळोन गेले. याद जाता इनासो ?

इनास : होय रे होय. आता उगडास जालो. मागी तेगे कितें जालें ?

राजू : तुमी सगळे रामबाबाक पळेले आनी गेले. खेळपाची ताकित आसली. पुण हांव थंयच रावलो. म्हाका म्हज्या आईची याद आयली. आनी रडूं आयलें.

धाकू : मागीर तूं आनी रामबाब रडत बसले ?

राजू : कित्याक रडत बसतले ? रामबाबाक हांवे धीर दिलो आनी हुन उदकान ताजे फोड धुले. रिक्षा करून तांका दोतोरागेर व्हेलो. दोतोरान तांका गुळयों आनी मलम दिलें. आनी सांगले कांयच भियेवचेली गरज ना.

धाकू : आंवय, पांया फोड जाल्यार म्हणोन भिवीं जायें. हांव जाल्यार लगड्यांनीच भोंवतलों आसलों. (अॅक्शन)

युसूफ : धाकू...धाकू तुका लजय दिसनारे ?

राजू : दोतोरान सांगलें सदांच पाय बरो धुवून ड्रेसिंग करूं जाय. रामबाबान म्हळें 'म्हजें ड्रेसिंग कोण करतलो.' तेदेवेळा हांव सांगलें 'रामबाबा तुमी भिवूं नाकात. हांव करता तुका ड्रेसिंग.

दोतोरान म्हळें 'तूं करता ? तुका कयटा' हांवे सांगलें गेल्याच वर्सा आमी First Aid Camp केला तांतून आमकां सगळें शिकयलां.'

आनी टिचर त्या दिसाच्यान हांव सद्दां सकाळ सांजवेळ रामबाबाले फोड धुवून ड्रेसिंग करूं लागलो. आनी टिचर... ताकाच लागून म्हाका राष्ट्रगीताक वेळ जातालो. आयच्यान म्हजें काम सोंपलें. टिचर रामबाब बरो जालो. आयच्यान हांव वेळार इश्कोलांक येतलों.

टिचर : शाब्बास राजू शाब्बास. मोठीच मोलादिक गजाल केली तुंवे. आनी तुजे हे वांगडी नाका नाका तें समजले.

युसूफ : खरेंच– टिचर म्हाका आज लज दिस्ता. त्या दिसा आमी सगळे पयळे. आनी राजून अेकट्यान रामबाबाली अडचण पळेली. राजूच्या करतुपाचें मोल ना. राजू चूक जाली म्हजी. हांवे तुका चोरून V. D. O. पळेता म्हळें.

अमिर : राजू, हांवे तुका चोर थारायलो. चूक जाली म्हजी.

इनास : टिचर .. राजून बऱ्या करतुपान आमकां बरें लिसांव घालून दिला...

धाकू : आतां करीना चाड्यो. करा मरे बरें भोगलें. चाड्यो करतात. खंय टिचरीकडेन. राजू हायेंन तुका कांय म्हणोना आं सांगतां तुका–

टिचर : आयकात. आयज जें राजून करतुप केलां ताजें मोल पैशानी जायना. राजूक रामबाबाली सेवा करीन दिसली कारण ताका कोणाचोच आदार नासलो. शिवाय तो जाण्टो तुमी मात राजूचेर नस्ते आळ घालें. आयच्यान तुमीय बरी सोपूत घेयात कि जाण्टयांची सेवा करप हें जण अेकट्याचें कर्तव्य. जावन आसा. ताका सगळ्यांनी पाळो दिवूं जाय. आयज काळच असे आयला कि जाण्टयांची सेवा करपाक कोणाकच नाका. तन्नी मना अेक ना अेक दिस आमीय जाण्टीं जातलीं हे विसरतात. राजून सगळ्यांक बरो धडो घालून दिला. फाल्या सकाळीं राष्ट्रगीताच्या वेळार राजूक हेडमास्तर कडल्यान हुनहुनीत परबीं दिवंया.

सगळे : राजू झिंदाबाद

-▣-

तशें जाल्यार...

पांच वर्सांचें मोनिका अमेरिकेंत वाडिल्यान ताका कोंकणी सारकी येनाआसली. कोंकणीच्या वर्गांत तें टीचरी-कडेन बडबडटालें.

'डॅडी रातीं हांव म्हज्यांत न्हिदलो–'

'हें बरोबर न्हय–' टीचरीन मदींच ताका आडावन म्हळें,

'– डॅडी रातीं म्हज्या म्हज्यांत न्हिदलो.'

मोनिका कांय खीण विचारांत पडले आनी तानें म्हळें–

'तशें जाल्यार म्हाका न्हीद लागतकूच तो तुगेर गेलो जातलो...'

संवाद : सुसंवाद : विसंवाद

....भाषा–शास्त्राच्या संदर्भांत

'कुळागर'च्या जानेवारी अंकांत माधवी सरदेसाय हांच्या लेखांत लॅटीन आनी संस्कृत ह्या भाषांत साम्य आसल्याचें सगळ्यांत पयलीं सर विलियम जोन्स हांकां दिसून आयलें आनी तातुंतल्यान 'फॅमिली ऑफ लँग्वेजिस' ची कल्पना फुडें आयली अशें म्हळां. पुण तें खरें न्हय. १५८१ ते १५८७ अशीं स–सात वर्सां फ्लॉरेन्सचो फिलिपो सासेती नांवाचो अेक व्यापारी मडगांवां आशिल्लो. ताका भाषा शिकपाचो छंद आसलो. ताणे संस्कृत, मराठी आनी कोंकणीचो अभ्यास केलो तेन्ना ताका संस्कृत, ग्रीक आनी लॅटीन ह्या तीन भाषांत साम्य आसल्याचें दिसून आयलें. ताणे एक प्रबंध बरोवन इटलींतल्या विद्यापीठाक (खंयच्या ती याद जायना) सब्मिट केलो. पुण फुडें हो विचार कोणे फुडें व्हेलो ना. माधवी सरदेसायचो लेख आवडलो हें मुजरत कळयतां.

– बा. द. सातोस्कर
दोना पावल

'कुळागर' अशें आसचें...

फाटलीं कितलींशींच वर्सां हांव कुळागर नेमान वाचतां. कुळागरांत बरेचशें लेखन बऱ्या दर्जाचें आसता. पुण कांय वेळा थोड्या बरपाक व्हडलोसो दर्जी नासता.

दुसरें म्हळ्यार, कोंकणींत एकच एक मासिक आशिल्ल्यान ताचें स्वरुप फकत लिटररी आसचें काय कितें हाचेर विचार जावंक जाय. म्हज्या मत्तान तें सर्वसादारण वाचकामेरेन पावतलें जाल्यार तातूंत साहित्या बरोबरच थोड्या प्रमाणांत सामाजिक, राजकी आनी हेर विषयांचेरय लेख आसूंक हरकत ना.

म्हाका दिसता, कुळागरांतलें लेखन खुसखुशीत, लायट अशें चड आसचें. म्हळ्यार ट्रेनींत वा बसींत घेवन बसल्यार वेळ कसो गेलो कळचें न्हय. तुमी हाचेर विचार करतले अशी आस्त बाळगितां.

– माधव बस्तोडकार

म्हाका आजून गोमना...

'न्हंयचे धडेर लोकांची गर्दी आसली. ल्हानशे फातरा धडेवयल्यान तांतलो अेक भुरगो तोल वचून उदकांत पडलो. घे बोबाळ जालो. 'ताका काडात रे, ताका वांटायात रे...'

पुण कोणूच आपलो जीव त्रासांत घालूंक तयार नासलो. निमाणे अेका तरणाट्यान अुदकांत अुडी माल्लीच. दीस्त तो त्या भुरग्या म्हऱ्यांत पावलो. भुरग्यान ताका वेंग माल्ली आनी दोगूय वयर आयले.

लोकांचे खोशेक शीममेर अुल्ली ना. जो तो त्या तरणाट्याची तुस्त करतालो. निमाणे कोण तरी अेक समाजसेवक फुडें आयलो. आनी थंयच्या थंय ताणे सभा भरोवन त्या तरणाट्याचो सत्कार केलो भाशणा फाटल्यान भाशणां जालीं. खंयच्यान तरी फुलां हार हाडून ताज्या गळ्यांत घालो. आनी त्या तरणाट्याक दोन अुतरां अुलोवंक सांगलें. तरणाटो अुबो रावलो. सगल्या लोकांचेर ताणे बारीक नदर माल्ली.

'– हांव येदोळ्यान चिततां... म्हाका आजून गोमना– कोणे म्हाका धुकल्लो तो...'

क्षयरोगाला सामना द्या

१. दोन आठवड्यापेक्षा अधिक काळापासून तुम्हाला सतत खोकला येत असेल किंवा थुंकीमधे तुम्हाला रक्त आढळून आले तर तुम्हाला फुप्फुसाचा क्षयरोग झालेला असू शकतो.

२. तुम्ही जवळचे प्राथमिक आरोग्य केंद्र, औषधालय किंवा क्षयरोग केंद्रामधे स्वतःला तपासून घ्या विशेषतः तुमची थुंकी तपासून घ्या.

३. डॉक्टरांनी सांगितलेले औषध नेमून दिलेल्या काळामधे नियमित घेतले तर क्षयरोग बरा होऊ शकतो.

४. रोग झाल्यानंतर तो बरा करण्यापेक्षा आधीच त्याला आळा घातलेला अधिक चांगले म्हणूनच तुमच्या बाळाला बी.सी.जी. लस टोचून घ्या.

सेंट्रल हेल्थ एज्युकेशन ब्यूरो (डी.जी.एच.एस.)
आरोग्य आणि कुटुंब कल्याण मंत्रालय
कोटला रोड, न्यू दिल्ली - 110002

davp 88/729 MAR